कोंकणी निरंतरी...

# पयणारी

आशावादी प्रकाशनाची डिजिटल कोंकणी साहित्यिक पत्रिका


• अंक : ६ • म्हयनो : अक्तोभर • वरस : २०२३ • मोल रु : ५०



संपादकीय: डिजिटल मिसांव २०२५

विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी– वीज साहितीक सर्त २०२१

इनामां जोडलेलीं बर्पां

- गळ्याक एक दांत्या फातर – मा. चेतन कापुचीन
- नियतिचो सूड – गीता नायक
- अंतू खुरीस जल्मला – प्रसन्न निङ्गोडी
- डिजिटल कोंकणी – लारेन्स वी. बारबोज
- आनलायन क्लास – राजश्री सैल
- पाक्याच्या दुकांसरी – ग्लेनीस मार्टीस
- पुजारी अनी बलिदान – प्रसन्न निङ्गोडी

अध्ययन: कथापाठ शिंकळ – III

लेकन: आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल पुस्तकां

(लारेन्स फरलिंगोटी) काकुळत येता देशाची – शैलेंद्र मेहता

(माया आंजेलो) तरी हांव उटतलिंच – जेराल्ड वी. कारलो

फ्रेड्रिक क्वाड्रस स्मारक आशावादी डिजिटल पुरस्कार २०२१

केवीन डिमेल्लो स्मारक कथा सर्त २०२३

संवाद: अवील रास्कीन्हा





अवील रास्कीन्हा



विलफी रेबिंबस



फ्रेड्रिक क्वाड्रस



## शेकड्याचो कोंकणी मान मनीस
## बस्ती वामन शेणय



आशावादी प्रकाशन

यदाहं जीवमि, अहमाशंसे

वल्ली क्वाड्रस
(मुकेल संपादक)

शैलेंद्र मेहता
(सह–संपादक, नागरी)

मा. जेसन पिंटो
(सह–संपादक, रोमी)

वीज कोंकणी

डा। आस्टीन प्रभुच्या संपादकपणाखाल चिकागो थावन येंवचें ई–पत्र

## संपादकीय: डिजिटल मिसांव २०२५



बदलावण मात्र ह्या संसारांत कायामाचें. (CHANGE is the only constant thing in this world)
कोंकणी साहित्य सयत वेळाकाळाक सरी जावन वेग-वेगळें रूप घेवन मुकार आयलां जशें संसारांतल्या खंच्याय भासेपरीं. कोंकणिचें खाशेलेंपण म्हळ्यार ही फकत एका प्रांत्याक वा एका समाजेक वा एका जाती-धर्माक मात्र लग्ती जाल्ली वा जांवची भास न्हय. वेग-वेगळ्या धर्माच्यांनी, वेग-वेगळ्या राज्याच्यांनी, वेग-वेगळ्या लिपी-बोलिंनी व्हाळची कोंकणी भास आज कोंकणी एक जागतीक भास जाल्या आनी प्रत्येक जावन डिजिटल काळार नव्यो वाटो रुतां जाल्यात ज्यो कोंकणिच्या बऱ्या फुडाराच्या दिशेन महत्वाच्यो.

चड पाटलो इतिहास आमी उस्तुंक वेचें नाका, पाटलीं कांय पन्नास वर्सांचो इतिहास पळेलो तर तो आमचेसमोर समाझीक रूपांतराची झळक आसा; आमची समाज रेडियो काळार आसलो टिवी काळार पावलो, टिवी काळ उत्रून कंप्यूटर काळाक पावलो, कंप्युटर काळ उत्रोन मोबायल काळार पावला. आतां कृतीम भुध्वंत्कायेचो (Artificial Intelligence) काळ. हांगासर मनशाच्या मेंद्वान रचलेल्या कंप्यूटरां चिंतुंक लागल्यांत आनी मनशा मेंद्वान दिलेल्या हिशारेंखाल काम करुंक लागल्यांत. तांत्रिकता आज सगळ्यांच्या ताबेंत ना तरयी तांत्रीक सक्तेची ओळोक समेस्तांक आसा. ह्या प्रक्रियेंत पयली उरवणी कर्ची जावनासा वेळ. कित्याक म्हळ्यार वेळ-च पयशे जाल्ल्या ह्या काळात चडतावांलागीं दुडू आसा, आस्त-बदीक आसा, ब्यांक बेलेन्स आसा पूण कितेंय ना तर वेळ. आज हकीगत भोव मारेकार जावनासा, खोलायेन पळेल्यार आमचेलागीं आयकुंक वेळ ना, चिंतुंक वेळ ना पूण 'जिवीत' म्हळ्ळी अनिवाऱ्य 'कर्नी' आधारून नेणासच्या शेवोटातेवशीन 'धांवणी' करून आसांव.

पूण जशें हेर शेतांनी रूपांतर जालां; फिल्मां, संगीत, कला, जानपद, फेस्तां-संभ्रम तशेंच साहित्यीक शेतांत सयत कितलें रूपांतर जालां म्हळ्ळें प्रश्न भोव गर्जेचें. दिसान दीस वाचपी उणे जाल्यात, बरवपी सयत तेच परीं उणें जाल्यात, आयकुंची, वासची सवय मायाग कशी जाल्या देकून फकत उअयतेले आनी बरयतेलेच चड. तेंयी मोटवें बरवन, बरयिल्लें तक्षण पर्गट करून वेतेले चड जाल्यात. एका समाजेच्या जेराल रितिच्या वाडावळेंत साहित्याचो पात्र मोलाधीक आनी भोव महत्वाचो देकून कोंकणी साहित्य ज्यें वेग-वेगळ्या लिपिंनी आसचें, जागतीक कोंकणी जावन रूपीत कर्चें भोव चड महत्वाचें.

डिजिटल साहित्य त्या दिशेन पुर्तें न्हय तरयी कोंकणिच्या फुडाराच्या शेवोटादिशेन नवो भर्वसो जरूर उभजयता म्हणच्याक पाटल्या कांय वर्सांनी जाल्ले नवे प्रयोग गवाय दितात. कोंकणिंतलें पयलें ई-पुस्तक (सागोराच्या वाटेच्यो झरी) आशावादी प्रकाशना २००५ इस्वेंत डिजिटल पर्गटणी करून कांय अट्रा वर्सां उतरल्यांत. ई-पुस्तकांत लिपिची बंधड आसा, एका लिपिंत आसचें पुस्तक अन्येका लिपिंत वाचुंक सलीस ना. ह्या दिशेन आ(आडियो) पुस्तक वाट करून दिता देकून २०१८ इस्वेंत यूट्यूब च्यानलाचेर आशावादी प्रकाशनाचें पयलें आ-पुस्तक (कथादायज) प्रसार जातच आज मेरेन १३४ वेग-वेगळ्यो कोंकणी कथा त्या च्यानलाचेर आसात; जांव त्यो गोंयच्यो, मंगळूरच्यो, मुंबयच्यो, वा कोचिनांतल्यो पूण कोंकणी काणियो त्यो देकून ह्यो एकेक कथा आयकून सभार पर्गांवात वस्ती कर्न आसच्या कोंकणी मोगिंनी आमकां धिन्वास पाटयिल्ले आसात. कित्याक म्हळ्यार हांगासर दोळ्यांची न्हय, कानांची गर्ज आसा (आयकुंक) आनी कानांक लिपिची बंधड ना.

जशें संसार प्रगतेच्या पावलांनी धांवून आसलेपरीं कोंकणीन सयत मुकार मेटां काडची गर्ज आसा. आमचेलागीं कांय देडशें वर्सांचो साहितीक इतिहास आसा. ह्या देडशें वर्सांनी कोंकणिंत पर्गटून आयिल्ल्यो भोव अमोलीक पुस्तकां आसात जीं रोमी, कानडी, नागरी लिपिंनी आसात. ह्या पुस्तकांक डिजिटल सक्तेचो उपेग करून लिपियंतर कर्ची गर्ज आसा. एका लिपिथावन अन्येका लिपीक सांकव भांदची गर्ज आसा. तेदनां मात्र आमी व्हाळचें उदक जावन न्हंय जावंक सक्तांव. नातल्यार आमी व्हाळानासच्या उदकाचें तळेंच जावन उर्तेल्यांव.

कोवीड म्हा-पिडेन आमकां जायतीं लिसांवां शिकयलीं, तांतलें एक लिसांव; मन आसा तर वाट आसा, देकून आज आमी आमच्या घराच आसून डिजिटल माध्यांत एकामेका मेळुंक जाता आनी कोंकणी साहितीक अभ्यास सयत असल्या वेबिनारां मुखांत्र करुंक जाता म्हणून कथापाठाच्या तीन शिंकळेंनी रुजू केलां. देकून आमी गोंयकार, आमी मंगळूरकार, आमी हे-कार, ते-कार म्हणून ल्हान चिंतचा बदलाक, आमी कोंकणकार म्हणून व्हड चिंतचें गर्जेचें. कोंकणी भिल्कूल ल्हान भास न्हय.

आशावादी प्रकाशन ह्या दिशेन वावर करून आसा आनी २०२० इस्वेंत वीस वर्सां संपयिल्ल्या संधर्भार आसा केल्ल्या वेबिनारांत

उचारल्लेपरीं, आशावादी प्रकाशन पंचवीस वर्सां संपंवच्या संधर्भार (म्हळ्यार २०२५ इस्वेभितर) ५० डिजिटल पुस्तकांक लिपियंतर करून पर्गटुंचें मिसांव हातीं घेतलां. आज ह्या डिजिटल पुस्तकांचें मोल आनी महत्व समजतेलीं नांत आसुयतेत पूण फुडारांत आमचे युवक, आमची भुर्गीं खंडीत जावन ह्या डिजिटल पुस्तकांचो फायदो कोंकणीक चडीत मापान हाडुंक सक्तलीं म्हळ्ळोच म्हजो आशावाद.

**– वल्ली क्वाड्रस**
(मुखेल संपादक – पयणारी)


---




**वीज कोंकणी - नीज कोंकणी**

कोंकणी एक जागतीक भास; कोंकणी भाशिकांक समेसतांक एका मनांत कोंकणी भास वेंगुंक तयार कर्चीं एक वेदी; वीज ई-हफ्त्याळें; हऱ्येका हफ्त्यांत डिजिटल रुपार पर्गटून येंवचें ई-पत्र वाचुंक चुकानाकात.

बरपां धाडुंक आमचो इमेयल पत्तो:
veezkonkani@gmail.com



Dr.Austin Dsouza Prabhu

कविता

## हार्सो जाला जाणटो

आज हांवे थारायलें
हाश्र्यांत पळोवचें सोडटलें
मीऱ्यांक मार्चें फेर्
केंस काळे कर्चें पडटले
पडबींब दिस्ना निवळ
दोळ्यार जशी येवची साय
हार्सोच वणटीर बसून बसून
जाणटो जालां आसूंक जाय
पयलीं बरो म्हणटालो
'कितलें सोबीत दिस्ता तूं
भायर अशें सर्शी जाल्यार
दृश्ट बी लाग्ना मूं?
इल्लेशें लावन काजळ
उमो दिवन वच म्हाका
कोणाचीच वायट नदर
तुजेर केन्नाच पडूं नाका


हालीं मात दिसान दीस
रूप ताजे बदलत वता
म्हज्यांतच बदल जाल्ले वरी
म्हजे कडेन पळयत रवता
खरेंच!आता बदलूंक जाय
खात्री पटली आज बा
हार्सोच म्हजो जाला जाणटो
तांतूत कसलोच दुबाव ना

हांव बाबा तश्शें आसा
मात लेगीत बदलूंक ना
हार्सोच म्हजो जाला जाणटो
हातून मातय दुबाव ना...
हातून मातय दुबाव ना!!!



**– रुपाली मावजो र्पिर्तनी**

## शेकड्याचो कोंकणी म्हान मनीस बस्ती माम



बस्ती वामन शेणय

"जेराल रितीन एका शेकड्यांत एक म्हान मनीस कोंकणिंत उदेवन येता आनी तो समेस्त कोंकणी लोकांच्या काळजांनी सदांकाळ जियेता. जशें आदल्या शेकड्यांत शेणय गोंयबाब तसलो आसलेपरीं ह्या शेकड्यांत बस्ती वामन शेणयमाम" मार्च वीस तारिकेर गोंयच्या धेंपे कोलेजीन चलयिल्ल्या राश्ट्रीय म ाच्या वेबिनाराचेर उपन्यास दितास्तां मेलवीन रोड्रिगसान उचारल्लीं हीं उत्रां, कोंकणी भास, संसकृती, साहित्य, कला, वावराविशीं माहेतआसच्या कोणेंय नेगार करुंक जायनासचें उतर. २०२२ इस्वेच्या जानेर २ तारिकेर आपल्या ८८ वर्सांच्या पिरायेर आमकां आदेवश मागून गेल्लो एक म्हान कोंकणी झुजारी.

हांव कोंकणी साहित्याचो वावर सुरू केल्लो १९८८ इस्वेंत 'काणीक' नेमाळ्याचो सह-संपादक जावन, म्हज्याकी पयलें तसलोच वावर करून म्हाका प्रेरण दिल्ले मेलवीन रोड्रिगस (मित्र नेमाळ्याचो सह-संपादक, काणीक नेमाळ्याचो सह-संपादक, पंचू बंटवाळ, राकणो नेमाळ्याच्या संपादकीय मंडळिंतलो आंड्र्यू डी'कुन्हा, उपरांत उमेळो नेमाळ्याचो संपादक मावरीस शांतिपूर) तवळ आमची चडतावांची आर्थीक परिगत अशीआसली म्हळ्यार जशें कानडिंत एक सांगणी आसा 'हो`गे हि ल्लदिद्रू जु गे मल्लिगे (पोटाक पीट नासल्यारी केसांग मोग्रीं)'.हांगासर मोग्रें म्हळ्यारआमचो कोंकणी साहितीक वावर. देखुन पयलें मेलवीन रोड्रिगस गलफाक पावलो, उपरांत आंड्र्यू डिकुन्हा आनी थोड्या तेंपा उपरांत हांवयी गलफाक पावल्यांव.

मेलवीन, आंड्र्यू हेरांक सांगाता मेळवन दुबंयत कोंकणी वावर मुकारून वेलो आनी हांवें कुवेयटांत. आशावादी प्रकाशन, दायज.कोम अशें कोंकणी साहित्य पर्गटचें, तशेंच पुस्तकारुपार तें जोगांवचें मिसांव सुरू कर्ताना ह्या वावराकसयत एकलो पळेवन आसा म्हळ्ळें कल्पन केदिंच केल्लेंना. २००० इस्वेथावन २००८ इस्वेपरयांत सत्तावीस कोंकणी पुस्तकां आशावादी प्रकाशनान पर्गटलीं. चडताव पुस्तकां कुवेयटांत, मंगळुरांत तीं लोकार्पणजालीं.

कुवेयटांत एका बहुराश्ट्र कंपणेचो ऐटी प्रोजेकट म्यानेजर जावन वावर कर्नआसलों, कुवेयटांत आसल्यारी दुबय, कतार, मसकत, सावदी, बाह्रेयन, जोर्डन, लेबनान, टर्की अशें ९ देसांच्या ऐटी विभागांची जवाभदारी आसली देकून ह-येका पंद्रा दिसांक एक पावटीं एकेका देसाक वचुंक पडतालें पूण म्हजो सिंगल पोंयटअजेंडा जावनासलो 'कोंकणी बरवप्यांक मेळचो'आनी तांचे थावन कोंकणी साहित्य उभजांवच्ये दिशेन कांय इल्लो वेळ काडचो. वर्साक मेळच्या एका मयन्याच्या रजेरसयत म्हजे चडतीक दीस फकत कोंकणी वावराक वा कोंकणी बरवप्यांच्या भेटेंक आस्तालो. २००४ इस्वेंत सांगाती मीडियाचें मित्र नेमाळें नवें रूप घेवन उदेलें आनी हांव सयत मंगळूरआयल्यार चडतीक वेळ खर्चुंचो थंयच. देखुन म्हाका मेळुंक म्हणून येतेल्यांक मित्र दफ्तराकआपयतालों.

अशें एका दिसा म्हाका सोधून बस्ती वामन शेणयमाम आयिल्लो म्हणून कळताना हांव अज्यापलों. पूण दूस-ये दिसा परत म्हाका मेळुंक तो येता म्हणून म्हाका संदेश दिवून तो गेल्लो. दूस-ये दिसा ताणें सांगल्लेपरिंच म्हाका सोदुन आयिल्लो बसतिमाम म्हाका वयरथावन सकयल बरें करून पळेवन प्रश्न विचारी "वल्ली क्वाड्रस म्हळ्यार तुं चवे?". हांवें जाप दिली "व्हय", ताणें परत म्हाका मोगान प्रश्न केलें "तें आशावादी प्रकाशन तुगेले वे?", हांवें ताकाय "व्हय" म्हळें, ताणें परत मोवाळायेन प्रश्न केलें "कोंकणिं तसत्तावीस पुस्तकां पर्गट केल्लीं तुवेंच वे?" आनी हांवें परत तेंच उत्तर दिलें "व्हय". तेदनां ताणें जाप दिवून म्हळें "म्हाका त्या सर्व सत्तावीस पुस्तकांच्यो प्रती मोलाक घेंवचाक जाय, आतांच तुजे लागीं नांत तर म्हाका धाडून दिंवची वेवस्था कर" अशें म्हणून तो गेलो. पूण आजपासोन हांवें पर्गट केल्ल्या कोंकणी पुस्तकांक मोलाक घेवंक आयिल्लो एकमात्र कोंकणी मनीस म्हळ्यार बस्ती वामन शेणयमाम मात्र.

हांवें मित्र रिच्ची कवतारालागीं त्या पुस्तकांक बस्ती मामाक पावंवची जवाभदारी दिवून हांव पाटीं कुवेयटाक गेल्लों. पूण वेगिंच म्हाका वन्वास तयारआसलो. वन्वास म्हळ्यार अन्येकाथराची उत्रोण. उत्रोण (Passover) जिविताच्या

मौल्यामापणेक भोव महत्वाचें. कोण आपलो, कोण पेलो म्हळ्ळें दोळे उघडन देकुंक कर्चो हंत. हरेक उत्रोण एका संघर्शाक वाटक रून दिताली. जशें पयलें संघर्श मंगळुरांत करुंक आसलें उपरांत एक उत्रोणआयली, तांतूं मंगळूर सोडन बोंबोय येवन संघर्श करुंक पडलें. कितेंच न्हय आसल्या म्हाका कितेंतरयी जांवच्या दिशेन एक वाट तयार करुंक आसली. रिते बोल्स, रितें पोट पूण काळीज भरसपणां धरून केल्लें बोंबोयचें संघर्श मोगाचें म्हण्येता. रावुंक सुवात नास्तां टेरेसार मयने गट लेजियेल्ले दीस, बोल्सांत दुमडी नास्तां मयलांगटले चलून गेल्ले दीस, रेलवे स्टेशनांत मेळचें फुंक्याचें उदक दर बस्त पियेवन पोट भरलें म्हण म्हाकाच फटवन दीस काडल्ले दीस सर्व मोगाचेच. आतां तिस्री उत्रोण; गलफाचें संघर्श, आर्थीक दिवाळी म्हळ्ळ्या निबान गेल्लें काम, आनी काम नास्तां आसच्या दिसांनी हांवें पाळून आयिल्लीं आदर्शां म्हाकाच हेडायतालीं पूण म्हाका दोळे सोडन पळेवंक आसलें, पळेल्लें पार्कुंक आसलें, समजुंकआसलेंआनी तें फकत मावनांत मात्र साध्य. अशें ह्या संघर्शांत पयलें म्हाका सोडून गेल्लें म्हजें काम तरदुस्री म्हजीचआवय. उपरांत थोड्याच तेंपांत युरोपाक पावलों, बरफाच्या गांवांत स्विडानांत उदका थेंबे मात्र न्हय काळजांतलो कोंकणी मोगसयत गेटो जाल्लो.

उपरांत परत कोंकणी मिसांवाक पाटीं येताना कांय तेंपादीं म्हजे मोगाचे म्हणून लेकल्ले म्हजे पर्की म्हळ्ळेपरीं भगलें. आसूं, ह्या तीसऱ्या उत्रोणेंत नवें लिसांव आस्येता म्हणून हांवेंय पयले पावटीं कोणाक मेळचें कोणाक नाका म्हळ्ळें लेक घालुंक धरलें. हांव लेकाचो मनीस न्हय, लेकाक हांव जियेल्लोंच न्हय. पूण बदलल्लो संसार परत परत म्हाका उडास करून दितालो. पूण म्हाका म्हज्या काळजांत आसचें एक चिंतप, हांवयी 'तांचे परीं' करीन तर तांचेआनी म्हज्येमधें कितें तफावत? तीं तांची क्लास दाकंवदी पूण हांवें म्हजी क्लास केदिंच सोडन दिंवची न्हय. अशें कोंकणी पुस्तकां पर्गटचें मिसांव परत मुकारून गेलें. पुस्तकांचो खर्च कितलोय आसूं पूण केदनांच कोणाय थावन कितेंच पाटीं अपेक्षा करुंक गेल्लोंना आनी वचोयना देकून चुर्चुरेनांत. पुस्तकां पर्गट करून कोंकणी संस्थ्यांक, लैबरेरिंक फुंक्याक दितालों आनी तांचे थावन सवायेचीं च्यार उत्रां आयकून वेतालों. पूण बस्ती वामन शेणयमामाक पांच पुस्तकां मोलाक दितालों आनी म्हजी वाट मुकारून वेतालों. तो इतलो संवेदनाचो मनीस म्हळ्यार ताका पुस्तकां दिवून हांव पाटीं मुंबय पांवच्याधीं म्हज्या एकांवटाक पयशे पावताले.

एक पावटीं म्हाका बसति वामनमामान फोन करून सांगलें "अळे वल्लीबाब, तूं तुजीं पुस्तकां दिवून वेताय, म्हाका कित्याक मेळनांय, देखुन अन्येक पावटीं तूं येताना म्हाका फोन करून ये, आमी मेळून उलव्यां". हीं उत्रां आयकून म्हाका समजालें म्हज्येलागीं फोनार उलयिल्लो मानेस्त कितलो विशाल चिंतपाचो म्हणून. थोड्याच म्हयन्यांनी आशावादी प्रकाशनाचीं तीन नवीं पुस्तकां पर्गटलींआनी त्या पुस्तकांक दिंवच्या इराद्यान बस्ती मामाम फोन करून 'फाल्यां सकाळीं धा वोराशें तुमकां मेळुंक येतां' म्हळें. बस्ती मामानम्हाका 'धा वोरांक न्हय, इक्रा वोरांक यो' म्हणून फोनार सांगलें. देखुन हांवें चिंतलें, इक्रा वोरांक बस्ती मामाक मेळचें, उपरांत बारा वोरांक सुटल्यार एकावोराशें मा। विल्ली डिसिलवाक मूडबिद्री आळवासाक वचून मेळचें म्हणून लेकलें. पूण दूसऱ्ये दिसा जाल्लें वेगळेंच. इक्रा वोरार हांव विश्व कोंकणी केंद्राक पावलों आनी थोड्याच वेळान बस्ती माम पावलो आनी म्हाका ताच्या क्याबिनाक आपवन वेलोआनी इतल्या मोगान स्वागत केलो तें पळेवन हांव मूय जालों. हांव एक ल्हान मनीस, आनी म्हाका इतलो मान दिंवचो कोंकणी मनीस खरोच म्हान मनीसअशें भगलें. थोड्याच वेळान बस्ती मामान एकेकल्याक फोन करून "आज आमच्या विश्व कोंकणी केंद्राक कोण आयला गोत्तास्वे? मुंबयथावन बाब वल्ली क्वाड्रसआयला, देखुन तूं यो, आमी हांगाच जेवण कऱ्यां". थोड्याच वेळा नकांय पंद्रा–वीस कोंकणी मानेस्त – मानेसतिण्योआयलीं. आनी तांचे सवें जेवण केलें, खूप कोंकणी गजाली केल्यो. इतलीआत्मीयता, इतलो मोग आनी गवरव जो हांवें बस्ती मामाथावन जोडला तो अजून जिरवंक प्रेतन करून आसां.

त्या उपरांत बस्ती माम म्हाका बोंबोय आयल्यार फोन करून अपणान रांवच्या होटेलाचें नांव सांगतालो आनी म्हाकाआपयतालो. गोंयांत चलल्ल्यासा हित्यअकाडेमिच्या 'कोंकणीआटव्या वोळेरिंत २५ वर्सां' म्हळ्ळ्या तीन दिसांच्या साहितीक समावेशांतसयत आमी एकाच होटेलांत रावल्ल्यांव. सदांच ताचेथावन हांव कोंकणीक मुकार वरुंक जाय, कोंकणीक वयर हाडुंक जाय म्हळ्ळीं स्वपणां पळेतालों. तो कोंकणी स्वपणेली जाल्ल्यान ताचेथावन कोंकणी साहितिंचेर व्हडा अभिमानाचीं उत्रांच आयकतालों. यूवसाहितिंनी वेग–वेगळ्या प्रांत्यांनी कोंकणी वावर करुंक जाय म्हळ्ळे विचारताचे. म्हज्ये तसल्यांक प्रेरण दिंवचें टोनीक ताच्या एकेका उत्रांनी आसलें जाल्ल्यान केदनांय हांव बस्ती मामाक मेळतालों, कितें तरयी चिल्लरकामक चेंत्राण/प्रेरण घेवन वेतालों.

एक पावटीं एका मंगळरा म्हाका सकाळिंच फोन येताना हांव सकाळींआफिसाक वेच्या तयारायेनआसलों. बस्ती मामाचें फोन देखुन तें रिसीव कर्ताना बस्ती मामान सांगलें "राकणोचेर तुजी एक मोटवी काणी वाचलि रे, म्हाका बरीच रुचली". आयकून हांव अज्याप पावलों. मतिंत लेक घालें, कांय पर्न्या काणियेविशीं

उलयतास्तलो म्हणून "खंची काणी मामा?" म्हण प्रश्न केलें. ताचें उत्तर दिवून म्हणालो "एक्ये मऱ्यादेची काणी". एक बरोवाचपी आनी संवेदनशीळ चिंत्पाचो मनीस बस्ती माम म्हणच्यांत कसलोच दुभाव ना.

उपरांत हांव मंगळुराक पावलों, श्रीनिवास युनिवर्सिटी कालेज आफ इंजिनियरिंग एंड टेक्नोलोजीस हांगासर एम.बी.ए. शिकंवचो प्राध्यापक जावन थोडो तेंप मंगळुरांत आसले वेळार बस्ती मामाक मेळुंक गेल्लों. तो आयकून खूब संतोसलो आनी म्हणालो; "बरें जालें, आमी सांगाता कामकरुयां, हांव आसारे आनीकी धा वर्सांआसां, देखुन जायतीं कामां करुंक आसात" म्हणालो. पूण इतलें सांगून थोड्याच मयन्यांनीआमकां सांडून गेलो. पूण ताचें सपण आतां समेस्त कोंकणी लोकांचें सपण, आमी एका मनान, एका शेवोटा दिशेन काम करुंकआसा.

झुजारी तो जावनासलो पूण ताचें झुजाचें हातेर मोगआनी गवरव. ताणें कोणाचोच मान काडुंक ना बगार फकत मान-सम्मान दिला. ताणें समेस्तांक मान-सम्मान दिला देखून आज समेस्त कोंकणी लोक ताच्या एका नांवाकसयत मान दितात. बस्ती माम म्हळ्ळें नांव काडतानांच काळजा-मनांत कोंकणिचेर अभिमान भगता. म्हज्या कोंकणी वावरांत सभार म्हान कोंकणी मनशांक मेळ्ळां, खरेच म्हान मनीस ते; जाव्येता बाब उदय भेंबरे, जाव्येता बाब नागेश करमली, जाव्येत विलफी रेबिंबस, विजेपी सलडान्हा, एटी.लोबो, चा.फ्रा. दे'कोस्ता. पूण बस्ती वामन शेणयमामा तितल्या व्हड महान कोंकणी मनशातितलो व्हड कोणाकयी पळेवंकना.

शेकड्याच्या म्हान कोंकणी झुजारी बस्ती वामन शेणयमाम खंडीत कोंकणींत अमर.





कोंकणी लोकांच्या पर्गट मानाक फावो जाल्ल्या मानेस्त रोनाल्ड कुलासोक उल्लास आनी पर्भीं




कविता ट्रस्ट - कोंकणी कवितेंक समर्पीत ट्रस्ट.
www.kavitaa.com

# कोंकणी प्रगतेंत तांत्रिकतेचो पात्र

– लारेन्स वी. बारबोज, म्यांचेसटर – यू.के.

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तींत हुमेदिचें इनाम जोडललें लेक



It is not that we use technology, we live technology – एका जाव्यांची उत्रां हीं. तांत्रिकता वा Technology म्हळलो सब्द वाचताना वा आयकाताना मतिंक वेचें पयिलें चिंताप जावनासा कंप्यूटर, मोबैल, ल्यापटोप आनी हाका आधार दिंवचें अंतर–जाळ. कंप्यूटर अनीं सेल्यूलार पोनान मनश्यान एकामेका संपर्क, संवाद आनी माहेत पाशार करच्या रितिंत नवेंसांव हाडलें म्हळ्यार चूक जांवचिना. आमकां अता ही तांत्रिकता इतली सवयेर पडलिगी बील गेटसान सांगचेपरीं "The advance of Technology is based on making it fit in so that you don't really even notice it, so it's part of everyday Life". मनश्यान अपली गर्ज, अपली हाजी अनी प्रत्येक जावन बोगणां एकामेका थंय वांटुंक कर्चो आवाज जावनासा "भास". भासे मुखांत्र उलयिल्लें आयकाल्लें दाकल्या रूपाक परिवर्तन करुंक असा केल्ले संकेत वा चित्रांवणी जावनासा "लिपी". भासेचा आदाराचेर साहित्य वाडता अनी साहित्य एका समुदायाच्या समाजीक आनी सांसकृतीक जीवनाचे प्रतीक जावनासा. तर हांगासार सवाल, असल्या तांत्रिकतेन भासेचेर परिणाम घालोगी? परिणाम घालो तर तांतू आमच्या मांयभास कोंकणेक कांय तर बरेपण जालेंगी?, कोंकणेची वाडावळ, कोंकणेची गुणात्माक प्रगती जाली आनी जावंक साद्यता आसागी?, म्हळ्ळे अर्थ करचें प्रयत्न जावनासा हें बरवप.

सिनेमा एक लोकामोगाळ मनोरंजनाचें माध्यम, सिनेमांत साहित्याच्या सबार प्रकारांची गर्ज असा. जशें काणी, संगीत, पदां. पाटल्या दाकड्यांत कोंकणेंत सबार सिनिमां तयार जाल्ल्यांत तें न्हय अस्तां पाटल्या थोड्या महिन्या पैलें टफ्फ प्लाट –फार्माचेर कोंकणी सिनिमा पायस जाल्लो दाखलो असा. कोंकणी भासेच्या सिनेमा प्रकारांत निर्मापकांच्या पयश्यां सांगाता तांत्रिकतेन अपली देणगी खंडीत जावन दिल्या. १९४९ इस्वेंत जी.एम.बी रोड्रिगस हांचे "सुखी कोण" (हें पिंतूर सिनेमा घरांनी प्रदर्शानाक येवंक ना), १९९६ इस्वेंत डिसेंबरांत आयिल्ले डो.रिचरड कास्तेलिनो हांचे "बोगसाणे" हांतली तांत्रिकता आनी पाटल्या दशकाची म्हळ्यार जानेन नोरोन्हाचे "सोफिया", "कांतार" वा ह्यारी फेर्नांडीस हाचें "जांवय नं. १" हाणे व्हापर केल्ल्या तांत्रिकतेंत सभार नवेंपण दिसुंक मेळता. वीस वा तीस वर्सां अदीं कोंकणी सिनेमा, कोंकणे खातीर खेळल्लों जुगार तर, प्रस्तूत मेळचे डिजिटल क्यामारा, उंचले रेकार्डिंग स्टुडियो, संपादन (editing) करचें काम सलीस करतात जाल्ल्यान उण्या वेळांत उंचल्या म ाचे सिनिमा तयार जाता, तें न्हय आस्ता अमेजान–प्रैम, नेट–फ्लिक्स आनी हेर OTT प्लाट –फार्मां वर्वीं प्रचार करुंक सुलभ जाता.

कोंकणी भासेची पोदां, कंतारां, धार्मीक काऱ्यक्रमा यू ट्यूबाचेर आनी सोशियल मिडियाचेर धाराळ मापान आसात. सोंप्या उत्रांनी सांगचें तर तांत्रिकतेचो व्हापर करन कोंकणी मनोरंजन शेतांत क्रांतीच जाल्या म्हण सांग्येत. हीं तांत्रिकता प्रसार कर्च्या कामाक अत्यंत पूरक जावनासा. कोरोना म्हा पिडेवेळाच्या लाकाडवनावेळार असा केल्ले अन–लैन कारयक्रमांनी कोंकणेक संसारभर वेलें. फेस–बुकाचेर आसा केल्लो "कविता माटोव" कारयांत कोंकणेंतल्या सभार कविंची कविता ल्हान भुर्ग्यां थावन धरन प्रायेस्तांनी लेगून वाचून सादर केली. SKA LONDON हाणीं आसा केल्ल्या अन–लैन संगीत स्तैंत देश विदेशाच्या कोंकणी लोकान अपलें गांवचें तालेंत संसारभर दाकयिल्लें. हांगासर तांत्रिकतेन कोंकणी प्रसाराच्या सांगाता कोंकणी लोकाक 'डिजिटली सांगाता हाडले' म्हळ्यारी चूक जांवजिना.

## पय्णारी डिजिटल साहितीक जर्नल अंको–७

- डिजिटल कोंकणि लेखनां
- कथापाठ IV विवर
- आशावादीचो डिजिटल पुरस्कार २०२३
- पय्णारी वरसाचो कथाकार २०२३
- वेंचीक कथा
- तर्जण कथा
- मय्न्याच्यो इनामित कविता
- तर्जण कविता
- संवाद

मनोरंजन दिंवचे सिनेमा, विडियो वा पदां असा करिजय जाल्यार ताका जाय जाल्ली म्हळावी गर्ज जावनासा साहित्य, जसें सिनेमांक काणी, पदांक उत्रां. साहित्य एक व्हाळची झर, साहित्याची जवाब्दारी कितें आनी कितली म्हळ्ळें सागोंक त्रास पूण साहित्य सामाजेर प्रभाव घाल्ता आनी साहित्याचेर सामजेचो प्रभाव असा. तांत्रिकतेचो व्हापर करन आमी कोंकणी साहित्य कितलें ग्रेस्त केल्या म्हण मापुंक वेचा पयलें विचारिजय असचें सवाल जावनासा, आमी कोंकणेंत तांत्रिकता व्हापर करन प्रगट केल्या साहित्याक कितलो पाटिंबो दिला?. केदाळा परयांत आमी तांत्रिकतेचो व्हापरा थंय विशाल नद्रेम चिंतिनांवगी तेदाळा परयांत कोणेयी कितेंच करुंक जायना. अतां पाटल्या १५-२० वर्सांचे कोंकणी साहित्य पळेल्यार हांतूं तांत्रिकतेन प्रमूक न्हय तरी थोड्या मापान तरी अपली हाज्री दाकयल्या.

२००० इस्वे उपरांत कोंकणी साहितीक जाळी जागे उदेले, जेराल थरान सांगचें तर अंतरजाळ वा इंटरनेट तांत्रिकतेन आमकां दिल्लो एक उग्तो जागो. ह्या जाग्यार कोणेयी केदाळारी येवंक अवकास असा. हो जाळिजागो व्हापर्न कोंकणेंत साहितीक स्पर्धो, काणियो, कविता, कादंबरी (चड नांत) विमर्सो अनी लेकनां प्रगट जाल्यांत. ह्या डिजिटल माध्यमा मुखांत्र कोंकणी बासेचें साहित्य तुरंत लोकाक मेळाशे जालें. सबार नव्या साहितीक अवकास मेळ्ळो. Google meet, Zoom अनी Teams तसल्या तांत्रिकते वर्वीं संसारभर असल्या कोंकणी लोकाक कथापाठ, कविगोश्टी तसलीं कोंकणी अध्ययन आनी संशोदानांक आधार दिंवची तसली कामासाळांची साध्यता जाली, दाखल्याक अशावादी प्रकासानाच्या मुखेलपणाध्वारीं २०२० इस्वेंत असले केल्लें पांच कथापाठ वेबिनारांची दुस्री शिंकळ; कर्नाटक गोंयां कोलेज विद्यार्थिंक तसेंच उदेवन येंवचा कथाकारांक ह्या वेबिनारां मुखांत्र तांचे विचार/प्रबंध माडुंक एक अवकास मेळ्ळो. कोंकणी अतांच्या युवजणलांगी वरुंक तांत्रिकता एक उत्तीम माध्यम जावनासा. दाखले दिंवचे तर: "सागोराचा वाटिच्यो झरी", "लाकडावन" अनी "विलफ्री रेबिंबसाचे विंचणार कथा" तसले डिजिटल/ई-बूक. "कथा दायज", "सूरयो उदेता", "सूरयो उदेला" " मायानगरी" अनी "कथामृत" तसले अडियो बूक यू-व्यूबाचेर सलिसायेन आयकोव्येत. ई-बूकानी आसची लिपिची बंधड आडियो बुकानीं ना. किटाळ.कोम, कविता.कोम, पयणारी.कोम अनीं मांय-भास.कोम तसले जाळिजागे उसतिल्यार डिजिटल रुपार जायतें साहित्य वाचुंक आनी अयकोंक मेळता.

सा। लुवीस कोलेज अनी वीज कोंकणी सांगाता मेळून अंतरराषटीय ई-कोंकणी बास अनी संसक्रती म्हळ्ळो अन-लैन शिकाप असा केलां. राकणो, उज्वाड तसल्या प्रिंट माध्यमाचा पत्रांनी तांचे अंके ठईऊ करन अंतरजाळी मुखांत्र वाचप्यांक वाचुंक असा केल्यात. हें सगळें दाखले पळेताना आमी कोंकणेंत तांत्रिकता मस्तू न्हय तरयी समधान जांवच्या तसल्या रीतीर व्हापर केलां. हांगासर मतीक वेचें उणेपण वा बाकी ऊरल्लें काम कितेंगी म्हळ्यार, कोंकणी साहित्य कांय पाटल्या १५-२० वर्साचे नैं. १९५० इस्वेंतली जो. सा अलवारिसाची "अंजेल" अनी १९६२ इस्वेंतली विजेपी वा खडाप हाची "देवाचा कूरपेन" कादंबरी केवल एक दाखलो म्हण विंचल्यार, कोंकणेंत पाटल्या ६०-७० वर्सांनी खूप साहित्य प्रगट जाला अनी हें सगळें प्रिंट मिडियाचेर असा. तांत्रिकतेचो उपयोग करन हें सगळें कोंकणी ई-लैबरेरी वा अन-लैन लैबरेरी असा केल्यार कोंकणेचा मुखल्या पिळगेक खंडीत उपकाराक पडतलें.

खंच्येंय एक नवेसांव येताना तांतूं बरेंच असा म्हण सागुंक जायना. हरयेका तांत्रिकतेक तांचीच म्हळ्ळी गड असा. अमचो देश कांय ल्हान न्हय, हांगासर तांत्रिकतेसवें मूळ सुविदा/सवलत्यो एकाच रीतीन वाटुंक नांत. त्या देकून तांत्रिकतेची उपलब्दाता, दाखल्याक इंटरनेट सवलाताय देशाच्या सर्व कडे एकाच रितीन ना. तशें जाल्ल्यान तांत्रिकतेचो उपयोग करन भासेची वाडावळ शेराक मात्र सिमीत जांवची साध्यता असा. तांत्रिकता असल्यार पावाना तीं व्हापरुंक कळाजय, त्या देकून ही तांत्रिकतेक व्हापार्ची तर्भेती दिल्यार मात्र हाचो बरो प्रयोग करयेत. हांगासर तर्भेती मळ्यार डिजिटल मध्यमाचेर साहित्य रसचें, अडियो अनी विडियो रचून ताचे संपादन कर्चे प्रमूक जावनासा. तांत्रिकता मनश्या-मनश्या मधलो शीदा संपर्क (Interaction) उणें करता तें स्त जावनासा. कोंकणी वाचपी, कोंकणी लोक सांगाता उणे म्हळ्यार अनी एक वा दोन भासो जाणां अस्तात. तांत्रिकता प्रत्येक जावन अंतरजाळ वाचप्यांक खंच्याय विशयाचेर कोंकणे सांगाता हेर भासांनी असच्या साहित्याक सलीसायेस तुलन कर्चो अवकास कर्न दिता, तशें जाल्यान ह्या तांत्रीक काळार वाचपी जाय तर, साहित्याचो प्रसार अनी म ˙ म्हळ्यार विशयाची गुंडाय, विविधता अनी नवेसांव गर्चेचें जावनासा.

तांत्रिकतेच्या नद्रेन, प्रमूक जावन डिजिटल माध्यमाध्वारीं कोंकणिची प्रगती करुंक साध्य असा, हांतूं प्रमूक जावनासा.

- हो तांत्रीक यूग जावनासा टेप, वी.सी.अर, सिडी अतां 'प्राचीन'. टीवी कितलो तेंप आस्तेलिगी म्हण सागुंक जायन, सगळ्या संसारातलो सुमार साठ प्रतिशत लोक अंतरजाळाचो व्हापर कर्ता, अशें जाल्यान हांगासर 'वेळ' दीस वेता वेता चड

मारग जाता, असल्या परिगतेंत कोंकणी, डिजिटल रुपार मेळात तर आमच्या यूव पिळगेन कोंकणी वाच्ची साध्याता चड असा.

– एदोळच सांगाल्येपरीं अंतरजाळ एक उगतो जागो, ह्या उगत्या जाग्यार कोंकणेची कृषी केल्यार साहित्य रचताल्यांक अधार (Reference) सोधुंक सलीस जाता, सभार आदार वाचून, चिंतून बरयिल्लें बराप साहितीक नद्रेन ग्रेस्त जावन अस्ता.

– कोंकणी साहित्याचेर खरो विमर्शो वा अभिपराय दितेले उणे, संपदाकांनी/ बरयणारांनी डिजिटल माध्यमाध्वारीं वाचप्यालागीं शीदा संपर्क करयेता, अशें केल्ल्यान वाचप्याची अभिपराय तुरंत घेवंक जाता अनी वाचप्याच्या अभिपराये प्रकार साहित्यांत विविधता हाडुंक साध्य असा.

–प्रिंट मिडियाक तुलन करन पळेताना, वाच्या विधाना सांगाता, साहित्य आयकोंचें अनी पळेंवचें डिजिटल माध्यमाध्वारी साध्य असा. अशें जाल्ल्यान संसारभर असल्या कोंकणी भाशिकांक लिपिचो समस्सो नास्ताना आयकोंक अनी पळेवंक हीं तांत्रिकता अवकास करन दिता. दाखल्याक कोंकणी साहित्य स्तेंनी साहित्याचे प्रमूक प्रकार जावन असच्या कविता, काणीं लेखन अनी प्रभंध स्पर्दो बरपानिशी जावनासा, हाचे सांगाता स्पर्द्याची कविता, काणी वा लेखन अडियो वा विडियो रुपारी दाडुंक सांगल्यार, हें सगळें साहित्य प्रिंट मिडिया सांगाताच डिजिटल रूपारी प्रसार करुंक साध्य असा.

आमी हरेकलो कोंकणी बासेचे प्रतिनिधी, कोंकणी भास ग्रेस्त अनी संसारभर वरचें काम अमचेर होंद्रोन असा. तांत्रिकता हें काम करुंक एक साहेत जावनासा. ह्या साहेताध्वारीं कोंकणी बास, कोंकणी साहीत, कला, कोंकणी लोक वेद कोंकणी तियात्र, सिनेमा, संगीत, नाटक अनी कोंकणी जानपद गुणात्मक करुंक खंडीत साध्य असा, अनी अशें जायजय जाल्यार अमच्या हरेकल्याची, अमच्या संघ–संस्थ्याची, कोंकणी खातीर नमियरल्या सर्कारी घटकाची मनोगती बदल्ची गर्ज असा.

---

कविता

## I WRITE WHEN I CAN'T SPEAK



तुज्या वांट्याचो वेळ अजूनय राखून दवरला
काळजां पल्लांत मोगा–उजो फुंकून दवरला

वाट तुजी तेळून सुर्याक सामकें पुरो जाल्लें
दर्यांत बुडचे पयलीं केंसांत जिखून दवरला

जीण पिळून तयार केल्लो अणभवाचो सोरो
तुका पिवोवंचे पयलीं तो हांवें चाकून दवरला

शीम हुपल्या उप्रांत हिशोब दिवंचोच पडटलो
म्हज्या दुखाचोय पोटलो हांवें जोखून दवरला

नव्यो संदी आपणायतना तूं म्हाका विसरला
तुज्या यादींचो मंत्र मात हांवें शिकून दवरला



– ग्वादलूप डायस

## आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल पुस्तकां

**१. ई– पुस्तकां** (डिजिटल पुस्तकारुपार, २००५ थावन)

२००५: **सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (कानडी, १०० कविता संकलन)

**लोकडावन** (कानडी, नागरी, रोमी: १२ कविता संकलन)

**सुरयो उदेला** (राश्ट्र म ाचें कथा संकलन)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (कानडी: अध्ययन)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (नागरी: अध्ययन)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (रोमी: अध्ययन)

**कथाविहान** (कानडी: कथापाठ शिंकळ ऌऌ चीं अध्ययनां)

**कथाविहान** (नागरी: कथापाठ शिंकळ ऌऌ चीं अध्ययनां)

**चल दोन चंद्रांक** ((कानडी, नागरी: कथापाठ अध्ययन)

**नवी दिशा** (नागरी: मोनिका डेसाच्यो कथा)

**अंतरनाद** (कानडी, नागरी: उर्जिता भोबेच्यो कविता)

**सिसिफस तेंगशेर** (कानडी: शैलेंद्र मेहताच्यो कविता)

**इंद्रधोणू उदेंव** (कानडी: उदय म्हांबरोच्यो कविता)

**मनस्फोट** (नागरी: सियालिनी फेर्नांडिसाच्यो कविता)

**मनाचें नातें** (नागरी: फिलोमेना सांफ्रान्सिसकोच्यो कविता)

**पडसाद** (कानडी: वल्ली क्वाड्रसाचीं संपादकीय)

**पडसाद** (नागरी: वल्ली क्वाड्रसाचीं संपादकीय)

**क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो ५० कथा** (कानडी)

**सांकव** (कानडी: वल्ली क्वाड्रसाच्यो कथा)

**सांकव** (नागरी: वल्ली क्वाड्रसाच्यो कथा)

**अपलो पर्की** (कानडी, नागरी: प्रसन्न निड्डोडिच्यो कविता)

**फांत्यापाराचें सपण** (कानडी: वाल्टर नंदळिकेच्यो कथा)

**छाबूक आनी हेर कथा** (कानडी: रोनालड मोंतेरोच्यो कथा)

**सत्यकाम** (नागरी: आर.एस.भासकराच्यो कविता)

**तांब सूरया हांव** (नागरी: प्रकाश द. नायकाच्यो कविता)

**मायी** (नागरी: सरस्वती द. नायकाच्यो कविता)

**कवी आनी कविता** (नागरी: शरतचंद्र शेणयच्यो कविता)

**मौन शब्ध** (नागरी: एन. बालकृषण मल्ल्याच्यो कविता)

**आत्मनाद** (नागरी: वैषणवी प्रितेश रायकराच्यो कविता)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (कानडी: कथापाठ शिंकळ ऌळ चीं अध्ययनां)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (नागरी: कथापाठ शिंकळ ऌळ चीं अध्ययनां)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ४ (कानडी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ४ (नागरी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ४ (रोमी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ५ (कानडी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ५ (नागरी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ५ (रोमी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ६ (कानडी)

**पयणारी डिजिटल साहितीक जर्नल** अंको ६ (नागरी)

**२. आ–पुस्तकां** (यूव्यूबांतल्या आशावादी प्रकाशनाच्या च्यानलाचेर आडियो रुपार: २०१८ थावन)

**कथादायज** (२७ कथा: वल्ली क्वाड्रस)

**सूरयो उदेता** (२७ कथा: कथा संकलन)

**मायानगरी** (३२ कथा: वल्ली क्वाड्रस)

**सूरयो उदेला** (२७ कथा: कथा संकलन)

**कथामृत** (२० कथा: क्लेरेन्स कैकंब)

**लोकडावन** (आडियो कविता संकलन).

## कथापाठ ll – वेबिनार सांखळेचें उक्तावण




माय १ (२०२१): "वेळाक सरी जावन मनशान बदलुंची चड गरज. आमचें भुरगेंपण टीवी युगांतलें, आमचें तरनाटपण कंप्यूटर युगांतलें, आमचीं भुर्गीं अंतरजाळ युगांतलीं तर आतांचो यूग आनी काळ रोबोटिक्स आनी आर्टिफिशियल इंटेलिजेन्साचो जाल्ल्यान कोंकणीक सयत ह्या डिजिटल युगांत पावंवचें काम समेस्त कोंकणी वावराड्यांनी एकामनान कर्ची गरज आसा" कथापाठ दूसऱ्या सांखळेचें उक्तावण करून आपल्या उदघाटन उलवपांत अनिवासी उद्यमी मानेस्त दो. रोनालड कोलासोन म्हणलें.

आशावादी प्रकाशन, अखील भारतीय कोंकणी परिशद तशेंच उजवाड पंद्राळें हांच्या जोड पालवांत जाल्ल्या ह्या पांच राश्ट्रीय पावंड्याच्या वेबिनार सांखळेंत विलफी रेबिंबसाच्या वेंचीक काणयांचेर जाल्ल्या अध्ययनाचें उक्तावण माय १ तारकेर, शेनवारा सांजेच्या ४:३०क डिजिटल माध्यमाचेर जालें.

हालींच अंतरलेल्या जोन क्रास्ता, मिरारोड, लारेन्स पिंटो, कुवेयट तशेंच प्रकाश बाब पाडगांवकर हांच्या आत्म्याक शांती मागून सुरू केल्ल्या ह्या वेबिनारांत कार्य निर्वाहण केल्ल्या शैलेंद्र मेहतान "कोंकणी फकत एका समुदायाची भास न्हय, पूण कोंकणी एक जागतीक भारतीय भास जाल्ल्यान, आमचे विचार विस्तारित करुपाची गरज आसा, आशावादी प्रकाशन ह्याच चिंतपान जागतीक स्तरार कोंकणी साहित्याक पावंवचें काम फाटल्या कांय तेंपाथावन करून आयलां आनी ते दिशेन हें वेबिनार आनी एक मैलाफातर," अशें सांगलें.

उजवाड पाक्षिकाचो संपादक मा. रॉयसन फेर्नांडिसान स्वागत उलवपांत समेस्त मान सोयऱ्यांक, उलवप्यांक, विद्यार्थ्यांक येवकार मागून, "आदल्या वर्सांत आमी कथापाठ पयली सांखळेमुखांत्र काणी म्हळ्यार कितें? काणयेंत कसले अंश गरजेचे, काणयांचे वेग-वेगळे प्रकार ह्या संगतेचेर अध्ययन




चलयलें आनी खरेंच जावन भोव उपकाराक पडची जाण्वाय आमकां लाभली. आतां विलफी रेबिंबसाचें साहित्य, आनी विलफी रेबिंबसाच्या काणयांचेर अध्ययन करची गरज आसा. विलफी रेबिंबस एक समाज सुधारक, देकून ताणें रचील्लें हर प्रकाराचें साहित्य आमी अध्ययन करची गरज " अशें म्हणलें.

आशावादी प्रकाशनाच्या वल्ली क्वाड्रसान विलफी रेबिंबसान बरयिल्ल्या काणयांची मटवी वळख करून दिली. पांच फिल्मांनी, आठ नाटकांनी, तशेंच पांच काणयांचो उल्लेख करून विलफी रेबिंबसान सत्तरच्या दसकांत बरयिल्ल्या; 'पिंत्रां', 'मूगुती', तशेंच 'फातिमाचें काजार' काणयांचेर मुकल्या हफ्त्यांनी अध्ययन चल्चेविशीं माहिती दिली.




प्रस्तावीक उलवपांत दो. जयंती नायक हिणें "कोंकणी साहित्यांत मोटव्यो कथा, कादंबरी प्रकार आसलेपरीं नीळगथा वा दीर्घ कथा म्हळ्ळो प्रकार सयत महत्वाचो आनी विलफी रेबिंबसाच्यो कथा ह्या नीळगथा प्रकाराच्यो जाल्ल्यान आमी त्या कथेंचेर अध्ययन केलें तर युवा कथाकारांक कांय मार्गदर्शन आनी प्रेरण लाभतलें," अशें म्हणलें.

एच्चेम पेर्नाल हाणें "राश्ट्रीय पांवडार कोंकणी कथाकारांविशीं उलयतना कोंकणी साहित्यांत त्या पावंड्यार आयिल्ल्या थोड्या काणयांचो उल्लेख करून, चडताव काणयेकार कांय तेंपाथावन बरवन आयिल्ले मात्र शिवाय यूवा बरवपी हे दिशेन पाविल्लीं नांवां भोव उणीं. विलफी रेबिंबसाची 'फातिमाचें काजार' काणी बरयिल्लो काळ कांय अजीक पन्नास वर्सां आदलो तरी ती कथा आयच्या समाजांत सयत लागू जाता," अशें सांगलें.

गोकूलदास प्रभून अपल्या उलवपांत "समकाळीन साहित्यासमोर कोंकणी कथा फाटीं उरतात, पूण नवे प्रयोग कोंकणी कथा साहित्यांत जाल्ले वा जातात हें आमकां पळोवंक मेळटात, ही अप्रुपाची गजाल," अशें म्हणलें.



मा. आलवीन सेरावोन अपल्या उलवपांत "साहित्याक समाजा मुखार व्हरूंक नव्यो वाटो सोदुन काडची गरज आसा" म्हणून कशें असतित्व म्हळ्ळ्या प्रयोगामुखांत्र इसकोलाच्या लिसांवांक वेदीक हाडन प्रयोग केल्ल्याचो दाखलो दिलो.

वीणा रेबिंबस पायस हिणें अपल्या उलवपांत "डॅडीचें साहित्य डिजिटल करपाची म्हजी आशा आतां आशावादी प्रकाशन मारिफात सुफळ जांवची पळेताना खरेंच वर्ती दादोसकाय भगता. डॅडीच्यो कथा उण्यो पूण त्या काणयांनी गुंडाय चड जाल्ल्यान आज मेरेन त्यो कथा वाचतना वाचप्याक नवोच अणभव जाता" म्हळें.

अखील भारतीय कोंकणीचे वतीन गौरीश वेर्णेकारान सांगलें, "डिजिटल माध्यमांत जर कोंकणिंत खूब वावर चल्ला तर तो खरोच जावन आशावादी प्रकाशनाचो, आनी लॉक-डावनाचा काळार तें आमकां समजून आयलें. कोंकणी भाशीक लोक जागतीक स्थारांनी शिंपडलेले आसात आनी ह्या समेस्तांक डिजिटल सक्तेचो आधार घेवन लागीं हाडपाचें काम आशावादी प्रकाशन खूब बरे रितीन करून आसा आनी अखील भारतीय कोंकणी परिशद सयत हेच दिशेन वावर कर्तेल्यांसवें काम करुंक भोव चड संतोस पावता."

## कथापाठ ॥. 'पिंत्रां' कथेचेर अध्ययन वेबिनार




८ माय २०२१: आशावादी प्रकाशन, अखील भारतीय कोंकणी परिशद आनी उजवाड पंद्राळे हांच्या जोड पालवांत चलल्ल्या कथापाठ दूसरे सांखळेंत, विलफी रेबिंबसान १९७०-व्या दसकांत बरयिल्ल्या 'पिंत्रां' कथेचेर अध्ययन, पयणारी संपादक वल्ली क्वाड्रसान चलवन व्हेलें. मंगळूर, गोंय कॉलेजिंनी शिकपी विध्यार्थी, प्राध्यापक, तशेंच हेर प्रांताथावन साहित्यिक अभिरूच आशिल्ल्यांनी हाजीर आशील्ल्या ह्या वेबिनाराची सूरवात मा. जेसन पींत उद्यावर हाणीं जेराल येवकार मागून, ह्या कथापाठाच्या मिसांवाविशीं मोटवो विवर दिलो. अखील भारतीय कोंकणी परिशदेची अध्यक्ष बाय उशा राणेन येवकार उलवप करून, कोंकणिंतल्यो उत्तीम कथा खंच्या प्रांतांत आसल्यारुय त्यो आमकां समेस्ताक पावंवचेविशीं आटोव गरजेचो आनी कोंकणी साहित्याची गिरेस्तकाय आमी समजुंची गरज आसा अशें सांगलें.

वल्ली क्वाड्रसान १९७०व्या काळार देशाची, राज्याची तशेंच मंगळूरची आर्थीक, सामाजीक परिगत कसली आसली म्हळ्ळ्याचेर मटवो विवर दितच, कथेच्या पांच अंशांचो उल्लेख करून, पिंत्रां कथेचेर खोलायेन विशलेषण केलें.

दो. प्रकाश पर्येंकार हाणीं कथापाठाची तोखणाय करून, अशें आमच्या कोंकणिच्या हेर लिपिंनी आसचें उत्तम साहित्य आमी अध्ययन करूंक जाय आनी हे दिशेन आमचो वावर चडुंक जाय म्हळें. मा.चेतन लोबोन 'आयची कथा म्हळ्यार फाल्यांचो इतिहास' म्हणून, विलफी रेबिंबसाच्या 'पिंत्रां' कथेंतलो वर्गभेद, जो समाजीक मारेकार जावन अजून आसा ताचेर अपले विचार उन्नायले.

मा. रॉयसन फेर्नांडिसान दीनवास आटयले. मा. जेसन पींतान हें वेबिबार चलयलें.

## कथापाठ II. 'मूगुती' कथेचेर अध्ययन वेबिनार




१५ माय २०२१: आशावादी प्रकाशन, अखील भारतीय कोंकणी परिशद आनी उजवाड पंद्राळे हांच्या जोड पालवांत चलल्ल्या कथापाठ दूसऱ्या सांखळेंत, विलफी रेबिंबसान १९७०–व्या दसकांत बरयिल्ल्या 'मूगुती' कथेचेर अध्ययन, पयणारी संपादक वल्ली क्वाड्रसान चलयलें. मंगळूर, गोंय कॉलेजिंनी शिकपी विध्यार्थीं, प्राध्यापक, तशेंच हेर प्रांताथावन साहित्यिक अभिरूच आशिल्ले हजेरी आशिल्ल्या ह्या वेबिनाराची सूरवात बाय सियालिनी फेर्नांडीस, गोंय हिणें जेराल येवकार मागून, ह्या कथापाठाच्या मिसांवाविशीं मोटवो विवर दिलो. उजवाड पंद्राळ्याचो संपादक मा.रॉयसन फेर्नांडिसान येवकार दिलो.

वल्ली क्वाड्रसान १९७०व्या काळार कथेची पाठभुंयचेर विवर दिवून मुंबय अंडरवरलड माफिया, आनी त्या वेळची देशाची, राज्याची तशेंच मंगळूरची आर्थीक, सामाजीक परिगत कसली आसली म्हळ्ळ्याचेर मो टवो विवर दितच, कथेच्या पांच अंशांचो उल्लेख करून, 'मूगुती' कथेचेर खोलायेन विश्लेषण केलें.

बाय योगिता वेर्णेकर हिणें अपले समीक्षेंत 'मूगुती' कथा तशेंच ते कथेचे फाटभुंयच्या सविस्तर विवरणाची तोखणाय करून मंगळुरांत कथाकार फकत दादलो/बायल विश्यांचेर उरनास्तां वेग–वेगळ्या विश्यांचेर कथा बरयतात म्हळें. दुसरी समीक्षकी ाय कोन्सेपटा फेर्नांडीस आळवान एक वाचपी जावन अपणाक मूगुती कथा कशी लागता आनी सामाजीक नदरेन ही कथा त्या काळार तशेंच आयच्या काळार समजुंक कितली महत्वाची हें सांगलें. डॉ. ऑस्टिन डी'सोज प्रभू, बाय फ्लोरीन क्यास्तलिनोन कथापाठांत चलल्ल्या विश्लेषणाविशीं दाधोसकाय उन्नायली. बाब शैलेंद्र मेहतान दीनवास आठयले. बाय सियालिनी फेर्नांडिसान हें वेबिबार चलवन व्हेलें.

## कथापाठ II – 'फातिमाचें काजार' कथेचेर अध्ययन वेबिनार




२२ माय २०२१: आशावादी प्रकाशन, अखील भारतीय कोंकणी परिशद आनी उजवाड पंद्राळे हांच्या जोड पालवांत चलल्ल्या कथापाठ दूसरे सांखळेंत, विलफी रेबिंबसान १९७०–व्या दसकांत बरयिल्ल्या 'फातिमाचें काजार' कथेचेर अध्ययन, पयणारी संपादक वल्ली क्वाड्रसान चलयलें. मंगळूर, गोंय कॉलेजिंनी शिकपी विध्यार्थीं, प्राध्यापक, तशेंच हेर प्रांताथावन साहित्यिक अभिरूच आशिल्ले हजेरी आशिल्ल्या ह्या वेबिनाराची सूरवात बाय स्मिता शेणय हिणें जेराल येवकार मागून, माय २० तारकेर अंतरलेल्या मा.बा. वी.वी.मिनेजस हांच्या आत्म्याक शांती मागून ह्या कथापाठाच्या मिसांवाविशीं मोटवो विवर दिलो. अखील भारतीय कोंकणी परिशदेच्या गौरीश वेर्णेकरान येवकार केलो.

हिलरी डिसिलवान 'फातिमाचें काजार' कथावाचन करतकच वल्ली क्वाड्रसान १९७०व्या काळार कथेची पाठभुंयचेर विवर दिवून मंगळूरची, घाटाची आर्थीक, सामाजीक परिगत कसली आसली म्हळ्ळ्याचेर मोटवो विवर दिव न, कथेच्या पांच अंशांचो उल्लेक करून, 'फातिमाचें काजार' कथेचेर खोलायेन विश्लेषण केलें. बाब विल्ली गोयेसान आपले समीक्षेंत 'फातिमाचें काजार' कथा तशेंच त्या कथेच्या फाट भुंयच्या



ाविस्तर विवरणाची तोखणाय केली. दुसरो समीक्षक एच्चेम पेर्नालान विलफी रेबिंबस आज सयत अपल्या साहित्यामुखांत्र प्रस्तूत अशे सांगलें. उज्वाड पंद्राळ्याच्या संपादकान दीनवास आठयले. बाय स्मिता शेणयन हें वेबिबार चलवन व्हेलें.

## कथापाठ राश्ट्रीय वेबिनारांत ’विलफी रेबिंबसाच्यो विंचणार कथा’ ई–बूक मोकळीक

२९ माय २०२१: आशावादी प्रकाशन, अखील भारतीय कोंकणी परिशद आनी उज्वाड पंद्राळे हांच्या जोड पालवांत जाल्लेदूसरे सांखळेंत, विलफी रेबिंबसान १९७०–व्या दसकांत बरयिल्ल्या ’पिंत्रां’, ’मूगुती’ आनी ’फातिमाचें काजार’ काणयांचेर राश्ट्रीय पावंड्याचें अध्ययन कामासाळ ’कथापाठ दूसरे सांखळेचें निमाणें कार्य ’ माय मयन्याच्या २९ तारिकेच्या सन्वारा सांजेर ४:३० थावन ६:३० मेरेन डिजिटल माध्यमांत जालें. वल्ली क्वाड्रसान कन्नड, नागरी तशेंच रोमी लिपींनी लिपियंतर करून, संपादन करून आशावादी प्रकाशनाखाल डिजिटल प्रकाशन केल्लो ’विलफी रेबिंबसाच्यो विंचणार कथा’ ई–बुकाचें मोकळीक कार्य ह्याच वेळार जालें.


कार्मेल कोलेज गोंयची शिक्षक बाय सियालिनी फेर्नांडिसान जेराल येवकार मागून कशें काणी आनी जिवीत एकामेका सावळी धरून समाजीक रुपां आनी मवल्यांक आटाप्तात म्हणून भुरगेपणाथावन मनीस जाणतो जातासर कथा ताच्या जिवितांत एक ना एक रितीन उपकाराक पडटा अशें म्हळें. उक्तावण उलवप जावन कोंकण मयना बाय मीना रेबिंबसान गेल्या चाळीस वर्सां आदीं बरयल्ल्या काणयांचो उगडास काडून, त्या काळाक परत आपवन वेल्लो अणभव करून दिल्लेपरीं जालें. विलफी रेबिंबसाच्या गितांक कशें समाजान व्हड मोगान स्विकार केल्लो, त्याच मापान ताच्या काणयांक लेगीत लोकांनी उगडास केल्ल्याखातर नमळायेन दीनवास धाडले.

येवकार उलवपांत बाब वल्ली क्वाड्रसान अपल्या थोड्या वावरांत भोव थोडेफावटीं आपणें केल्ल्या कामाचेर अभिमान भोगला आनी त्या भोव थोड्या कामांमदलें ही एक कथापाठ वेबिनार सांखळ आनी हे ई–बूक म्हणून कशें आपूण सुर्वेक मंगळुराक आयिल्ल्या थावन आज मेरेन बाब अवील रासकिन्ह आनी विलफी रेबिंबसाक ऋणी जावन आसां म्हणून विलफी रेबिंबसाच्यो कथा ऑडियो बुकारुपान फुडल्या म्हयन्यांनी प्रचारीत करचेविशीं म्हायती दिवन, फुडल्या कथापाठांनी कोंकणिच्या वेंचीक कथाकारांच्यो कथांचेरअध्ययन चलंवचेविशीं म्हायती दिली. साहित्य अकादेमी पुरस्कृत कवी बाब मेल्विन रोड्रिगसान विलफी रेबिंबसाच्या बरपांविशीं उलवन, ताच्या बरपांचेर राश्ट्रीय पावंड्याचें अध्ययन चलंवचे मारिफात




सरल्ल्या आत्म्याक सुंर्गारायिल्लेपरीं म्हळें तशेंच विलफी रेबिंबसाच्या समाजीक काळजी, संवेदनात्मक चिंतप कशें ताच्या दरेका बरपांत निशेतालें म्हणालो. गोंयचो बाब दामोदर मावजो अपल्या उलवपांत ’काळापरमाणें माथ्याक कूरमणें’ हे ओंपारीवरी, आयचो काळ डिजिटल जाला आस्ताना, आमीं आशिल्लेकडेन उरनास्तना, डिजिटल संसारावटेन पावलां मारूंक फाव. आनी ताणें गोंयांत सयत डिजिटल संसारांत जांवपी कोंकणी साहित्यिक कामांचो उल्लेख केलो. काणीक पत्राचो आदलो संपादक बाब अवील रासकिन्ह अपल्या उलवपांत विलफी रेबिंबसाक कशें बरें साहित्य आनी तें साहित्य पर्गट करूंक दिसपी अभिमानाविशीं उलवन, आपणें बरयिल्ल्यो सगळ्यो कथा काणीक पत्राचेर पर्गट करुंक दिल्लो उडास काडून, २००५ इस्वेंत पयलेफावटीं विलफी रेबिंबसाची ’मूगुती’ कथा वल्ली क्वाड्रसान दायज.कोमचेर पर्गट केल्ली हाचो उल्लेख केलो. बाब एड्डी सिकेरान विलफी रेबिंबसाच्या आनी ताच्या सुर्वातेच्या इश्टागतेच्या दिसांनी विलफी रेबिंबसाचें समाजीक स्पंदनाचें चिंतप तो कशें पदां/कवितेंनी जांव, कथा/नाटक जांव पूण साद्या लोकाक पावशें करुंक कसली


म्हेनत करतालो हाचो विवर दिलो.



कन्नड, नागरी आनी रोमी लिपींनी अशें तीन ई–बुकारुपार लिपियंतर करून संपादन करून आशावादी प्रकाशनान डिजिटल रुपार प्रकाशीत केल्ल्या 'विलफी रेबिंबसाच्यो विंचणार कथा' म्हळ्ळे तीन ई–बूकांचें मोकळीक चल्तच; गोंय कोंकणी अकादेमिचो अध्यक्ष (साहित्य अकादेमी पुरस्कृत) बाब अरूण साखरदांडेन अपल्या उलवपांत ह्या मारेकार काळार मनीस भिरांतेन अपल्या घरांत बसला पूण आपलें सपन, आपले आवय भाशेचो फुडार आनी हुसको धरून डिजिटल माध्यमांत आमी पयस आसूनयी लागीं जाल्यात आनी असलो वावर मुखार वचुंक जाय आनी आपलें ह्या वावराक फाटबळ आस्तलें अशें सांगलें. बाब मिगेल ब्रागांजान आपल्या उलवपांत जागतीक कोंकणी भास अनेक प्रांतांनी, सबार बोलिंनी वांटून गेल्या पूण डिजिटल मात्र एक शक्त जी ह्या सगळ्या बोलींक, सगळ्या लिपिंक एका सुतान बांदुंक शकता अशें सांगलें. बाबऑस्टिन प्रभून विलफी रेबिंबस एक संस्था म्हणून ताच्या मानाक, ताच्या नांवार आमी फाटल्या तीन वर्सांथावन राश्ट्रीय पावंड्यावायली कोंकणी साहितीक स्र्त चलयतात आनी हे फावटीं पयली जागतीक पावंड्यावायली कोंकणी साहित्यिक स्र्त आमी येवजिल्या हें सांगलें. बाय वीणा रेबिंबस पायस खतार अपल्या उलवपांत 'कथापाठांत विलफी रेबिंबसाच्या कथेंचेर ज्या मापान अध्ययन/समीक्षा चल्ली तें पळेवन खरोच जावन डॅडीच्या बरपांचो अभिमान दिसलो, आनी डॅडीचें साहित्य डिजिटल संसाराक हाडचें अपणाचेंय सपन जावन आसलें पूण तें सपन प्रत्यक्षांत हाडील्ल्या आशावादी प्रकाशनाक आनी ताका फाटबळ दिल्ल्या समेस्तांकी दीनवास उक्तायले. बाब विश्वास रेबिंबसान कशें एक भुर्गो जावन आसलेवेळार विलफियाब पदां रचचेवेळार सादीं उत्रां वापरुंक आनी मीटरांनी बरवंक आनी साद्या लोकांच्या काळजाक पांवची वाट कसली म्हळ्ळेविशीं उलयलो. बाब जेरी डिमेल्लो बेंदूर केनडा थावन अपूण एक संगीतकार, गावपी जावन विलफी रेबिंबसाच्या पंगडांत गायन करुंक वकास लाभल्लेविशीं अपलो अणभव वांटून घेवन विलफी रेबिंबसाच्या तीन काणयांचो मोटवो सार दिलो.

शैलेंद्र मेहतान 'कथापाठ दुसरी सांखकळ' हांतूं फाटबळ दिलेल्या कॉलेजिच्या प्राध्यापक/मुखेल्यांक; बाय अंजू साखरदांडे (धेंपे कॉलेज गोंय), बाब पूर्णानंद च्यारी (श्री मल्लिकार्जून कॉलेज गोंय), बाय राजश्री सैल (फा।आग्नेल कॉलेज पिलार गोंय), बाय पूजा रत्नाकर, बाय योगिता वर्णेकर, बाय सियालिनी फेर्नांडीस (कार्मेल कॉलेज गोंय) हांकां डिजिटल शिफारस पत्र दिवून तांचें अभिनंदन केलें.

कथापाठ दुस्री सांखळ बरे रितीन चलयिल्लेविशीं उलयतना आयोजकांमदली आदली अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेची अध्यक्ष बाय उशा राणेन समेस्त विद्यार्थ्यांची तोखणाय केली. बाय अंजू साखरदांडेन सयत ह्या कथापाठाखाला मंगळुरी मुळाच्यो कथाच न्हय तर, कोंकणी भाशेच्या हेर बोलिंचीं साबार उत्रां लेगीत शिकुंक एक बरी संद मेळ्ळी अशें सांगलें. बाब गौरीश वेर्णेकरान ह्या कथापाठाखाला कोंकणी कथेंची शक्त सगळ्यांकसमजुंक एक वकास करून दिलो अशें म्हळें.




उजवाड पंद्राळ्याच्या संपादकान मा.रॉयसन फेर्नांडिसान धिन्वास दिवन, जशें दोन 'कथापाठ' वेबिनार सांखळ भोव बरे रितीन केल्लेपरिंच फुडेंय हाचेपरस बरे रितीन आमी वेबिनारां आयोजीत करतले अशें सांगलें

बाय क्यारल वेगस मुंबय, कोन्सेपटा फेर्नांडीस आळवा बेंगळूर, एच्चेम पेर्नाल, स्मिता शेणय मंगळूर, बाब आर. एस.भासकर कोच्चीन, मोनिका डेसा डबलीन, लारेन्स वी. बारबोज म्यांचेसटर युके, नानू मरोळ दुभय आनी सबार हेरांनी ह्या वेबिनारांत भाग घेतलो.

बाय सियालिनी फेर्नांडिसान ह्या वेबिनाराचें सूत्रसंचालन केलें.



कविता

## मोगा दऱ्या.....

तुज्या शिरांनी व्हाळ्ळो
मोग मात्र?
तुज्या दोळ्यांनी फांकलो
मोग मात्र?
त्या हातां बोटांच्या
उंडियेंतय
मोव उसक्या नीं
हांड्यो खांदारय
गे अवय...
ओप्सिलोय मोग मात्र?...

तुज्या नितळ हास्यांत
उभाळ दुखांतय
निशेल्लो मोग मात्र?
रांदणी बगले खिरवन तोवल्ल्या
भगणांनी,
वोरलांत लिपवन
खावयिल्ल्या खाणांनी
जीरल्लो, मोग मात्र?


आंगणा बगले फुल्लेलीं
अबोलीं दस्मीं
उलवंक लागल्यांत
रंगांत तांच्या तुज्या
मोगाची साय
नेरावंक लागल्यांत
तांचे पासळेंत तुज्योय
मोगा यादी गे आवय
वाऱ्यार धलवन
पातळावंक लागल्यांत...




कविता

## कपल रितें

– फेल्सी लोबो.



कपल रितें
जीणें जितें,
दोळे मोठे
जनावरांचे.

जगचें कशें?
ओले दोळे,
सदचेच,
खंय चिड्डूं
विश्व भावनांचें?

हालीं,
गर्दी खूब
भोंवतणी,
कोणा कोणाचेर करूं
दोळे तांबडे?

कपल रितें
जीणें जितें,
दोळे मोठे
जनावरांचे.



– संजय बोर्कार

# विल्फी रेबिंबस स्मारक पय्णारी–वीज जागतीक कोंकणि साहितीक स्र्त २०२१



पय्णारी.कोम आनी वीज इ–पोत्रान २०२१ इसवेंत आयोजित केल्ल्या दे। विल्फी रेबिंबस स्मारक तीन लिपिच्या जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहितीक स्र्तींत इनामां जिक्लेल्यांचीं नांवां;

## १. मोट्व कथा विभाग

<u>पय्लें</u>: **मा। चेतन लोबो** (गळ्याक ऐक दांत्या फातर)

<u>दुसरें</u>: **गीता नाय्क**, गोंय (नियत्तिचो सूड)

<u>तिसरें</u>: **प्रसन्न निड्डोडी**, मुंबई (अंतु खुरिस जल्माला!)

### प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां

**रिचार्ड अल्वारीस**, मंग्ळुर (ना)

**ब्रिजित गोन्साल्वीस**, बार्कुर (तुवालो)

## २. कविता विभाग

<u>पय्लें</u>: **राजश्री सैल**, गोंय (आन्लाय्न क्लास)

<u>दुसरें</u>: **ग्लेनिश मार्टिस**, अलंगार (पाक्याच्या दुकांसरि)

<u>तिसरें</u>: **प्रसन्न निड्डोडी**, मुंबई (पुजारी आनी बलिदान)

### प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां

**युगा अडारकार, गोंय** (झुजाची चेतावणी)

**आकृति नाय्क, गोंय** (अजूनी ती मुक्त ना)

## ३. प्रभंध विभाग

### प्रोत्साह/हुमेदिचें इनाम



**प्रसन्न निड्डोडी**, मुंबई

## ४. लेखन विभाग

### प्रोत्साह/हुमेदिचीं इनामां

**लारेन्स वि. बार्बोज**, म्यांचेस्टर यु.के.

**डा. अरविंद श्यान्भाग**, कुमटा

स्र्तीच्या नेमांखाल जोक्तिं बरपां नात्लेल्यान, पय्लें/दुसरें/तिसरें इनाम रद्द केलां.

### स्र्तीचे वोरय्णार:

शैलेंद्र मेहता, वल्ली क्वाड्रस

## काणीक कोंकणिचें माणीक

– वल्ली क्वाड्रस

२००४–५ इस्वेंत दायज.कोम जाळिजाग्याच्या 'साहितिलागीं संवाद' अंकणाक लागून कोंकणी साहितीक उस्ताद एडवीन जे.एफालागीं हांवें विचारल्ल्या "कोंकणी पत्रिकुध्यमाविशीं तुमचे विचार कसले?" प्रश्नाक उत्तर दिवून एडविनान दिल्ली जाप जावनासली; "वल्ली, आर यू जोकिंग? कोंकणिंत खंय आसा पत्रिकुध्यम? जें पत्रिकुध्यम नांवार चल्ता तें रांडभाज ने?, कोणेंय दुडू दिवून अपणाक जाय जाल्लें, जाय जाल्लेपरीं छापचाक तूं पत्रिकुध्यम म्हणताय?"

हें उत्तर एडवीन तसल्याचें जाल्ल्यान कोणेंय चिल्लुंक जायना. कांय थोड्यांक हें अडहूक लागत पूण हांतलें राजांव भिल्कूल वाजबी. पूण कोंकणिंत पत्रिकुध्यम नां म्हण मांदलें तर, कोंकणी साहित्याक नेमाळीं/पुस्तकांनी पर्गटून वावर कर्तेल्यांक कितें म्हण्येता? कोंकणी भासेच्या ह्या वावरांत खूप वावर केल्लीं सभारां आसात. तसल्यांची आमी गण्णें करिनास्ताना रावानाये. सिरिवंत तसल्यांनी, रेमंड मिरांदा तसल्यांनी कोंकणी पुस्तकां छापल्लीं जांव, वेग–वेगळ्या संघटनांनी/नेमाळ्यांनी संपादन करून पर्गटणी केल्लीं जांव, आपल्या जिविताचो अमोलीक वेळ खर्चून लांब–दीग कादंबरी बरयिल्लीं जांव खंडीत कोंकणी साहित्याक जिवाळ दवर्च्या दिशेन अमोलीक देणगी दिल्लीं जावनासात.

'काणीक कोंकणिचें माणीक' म्हज्या इसकोलाच्या दिसांनी म्हज्या आकयच्या घरा (पांगळा) गेल्लेवेळार म्हाका वाचुंक मेळल्ल्या पयल्या कोंकणी नेमाळ्यांत हांवें जिकून धरल्लीं उत्रां. कानडी लिपियेंतल्या कोंकणी नेमाळ्यां पयकिंत 'काणीक' एक वेगळें जावनासलें. १९८०–८५ व्या काळार मोटव्यो कथा मात्र न्हय, सांकळ काणियो, कादंबरी आनी हेर भासां थावन तर्जण जाल्ल्यो जायत्यो काणियो वाचुंक मेळताल्यो. कोंकणी साहित्य वाचपी आसलो, एका घरांत वाचून जातच सेजार्च्यांनी तें नेमाळें वाचुंक व्हर्ची सवय आसली. नेमाळ्यांनी पर्गटून आयिल्ल्या सांकळ काणियांक, कादंबरेंक जोगावन दवरून उपरांत बुकारुपार दवर्तेल्या सभारांक हांव अजून जाणां. पूण ह्या सर्वांच्या पाटल्यान वर्ती मिनत आनी आटोव केल्ल्या कोंकणी लेखकांनी, संपादकांनी कोंकणीक दिल्लेंच चड शिवाय तांकां लाभल्लें कांय ना व चिल्लर म्हळ्ळें म्हजें खासगी चिंतप.

म्हजी पयली कोंकणी मोटवी काणी 'सलवणी' बरवन 'काणीक' नेमाळ्याक पोसट केली, थोड्याच दिसांनी ती काणिकेचेर छापून आयली, काणीक नेमाळ्याचो तवळचो काणीक सह–संपादक जावनासल्ल्या पंचू बंटवाळाचें एक कागद आयलें. तांतूं म्हाका 'सुर्विलें हुमेद दिंवचीं च्यार मोगाळ उत्रां' आसलीं. साहितीक शेतांत बोंगो जावन उदेंवच्या म्हाका तें हसतिचें त्राण दीवंक सकलें. थोड्याच वर्सांनी म्हज्यो मोटव्यो कथा त्या काळाच्या सर्व कोंकणी नेमाळ्यांनी पर्गटून येवंक लागल्यो, आनी थोड्याच तेंपान काणीक रुप्योत्सवाचो तो काळ देकून काणीक पत्रान साहितीक स्पर्धो जाहीर केल्लो. तांतूं कादंबरी विभागांत पयलें इनाम 'जेरी कुलशेकराक, दुस्रें इनाम 'रोनालड पिरेरा आंजेलोर' हाका फावो जालें तर तिस्रें इनाम म्हज्या 'उज्यांत फूलल्लें फूल' (म्हज्या तीसऱ्या) कादंबरेक फावो जालें.

कोंकणी साहित्याच्या मोगार पडताना म्हज्या वोंटार मिशियो फुटोंक नातल्यो. म्हज्येपरिंच साहितीक पिसाय आसच्यांची सळावळ केली; केवीन डी'मेल्लो कार्कळ, स्टीफन पिंटो कुंटल्पाडी, पंचू बंटवाळ आनी हेर थोडे. म्हज्याकी प्रायेन ल्हान आसच्या थोड्यांसवें आमच्यो साहितीक गजाली. स्टेनरो अजेकार, रोनी सोज अजेकार. इतलेंच न्हय, नेमाळ्यांनी कथा वाचून त्या कोंकणी लेखकांचो गांव/घर सोदून वेचें, तांकां मेळचें एक पिशेंपण तरयी म्हाका वर्ती दाधोसकाय हाडवंक लागलें.

कोंकणी लेखकांक, कोंकणी नेमाळ्यांच्या संपादकांक मेळचो हवेस. ह्येच इराद्यान सदां कोलिजीक वेताना मेळच्या दिसाळ्या (बस्साची टिकेट आनी दोनपारांचें जेवण) खर्चाक म्हणून पप्पान दिल्ले पयशे, दोनपारां जेविनास्ताना रित्या पोटार बसून, ते पयशे जमवन, मयन्याक एक पावटीं नेमाळ्यांच्या संपादकांक मेळची पिसाय म्हाका आसली. पूण म्हज्येलागीं कोंकणी पिसाय सोडल्यार हेर कसलोच अजेंडा नातलो जाल्ल्यान वेग–वेगळे संपादक वेग–वेगळ्या रितीन म्हाका लेक्काले, थोडे मुकल्यान तर थोडे पाटल्यान तुकलायताले. (बांगडो मेळता तर तारलो दिंवच्या मतलबी काळाक उत्रून आतां 'फायदो चिंतून पोकोळ उत्रांनी फोण्ण घालून समाजीक जाळिजाग्यांनी धुंपंवच्या ह्या काळार सयत म्हजेलागीं कसलोच अजेंडा ना, म्हाका कितेंच अपेक्षा ना तशेंच असल्या शाभासकेचो अंगालाप सयत नासच्यांक हांव काळजाथावन मांदतां देकून एकेक उतर म्हज्या काळजांतलें म्हळ्ळें म्हज्या काळजाक लागीं आसच्यांक समजांवची गर्ज ना) पूण एक संपादक म्हाका काळजाक भोव लागीं आसलो/आसा 'आवील रासकिन्ह', संयबान मोगाळ/मोवाळ आनी केदिंच कोणायचिंय (हेर संपादक व बरवपी) नकलां/खबरो करिनातलो खरोच डिग्निफायड संपादक तो जावनासलो.

१९८८-९ वो काळ तो, काणीक रुप्योत्सव सांलुवीस कोलेजिच्या उग्त्या मयदानाचेर आसा केल्लो. वेदिचेर कोंकणी मानाय; वी.जे.पी.सलडान्ह, ए.टी.लोबो, गब्बू उर्वा, चा.फ्रा.दे'कोस्ता, जुडीत मसकरेन्हस, ब्लेसियस डी'सोज. आनी ह्या काऱ्यांत काणीक पत्रान चलून आयिल्ल्या २५ वर्सांच्या वाटेविश्यांत म्हाका उलंवचो सुवाळो म्हज्या जिविताच्या सुभागी दिसांपयकिंत एक म्हणून लेक्तां.



(मारियेट आनी आवील रास्किन्हा, ए.टी. लोबो, ब्लेसियस डिसोज, जुडीत मस्करेन्हस, चा.फ्रा.देकोस्ता, गब्बु उर्वा, वी.जे.पी. सल्डान्हा)

पंचू बंटवाळ आनी विन्सी पिंटो कुलशेकर काणीक नेमाळ्याचे आधले सह-संपादक जावनासले देकून म्हाका ह्या कोंकणी नेमाळ्याची वोड जब्बोर जावन आयली आनी थोड्याच दिसांनी हांव अजेकार थावन कुलशेकरच्या सांताक्रूज प्रेस्साक पावलों आनी आवील रसकिन्हाक मेळून "म्हाका काणीक पत्राचो सह-संपादक काम मेळतकाय?" म्हणून प्रश्न केल्लें आयकून आवील मात्सो हासलो, पूण मोवाळायेन म्हाका म्हणालो; "चिंतून सांग्तां". पूण थोड्याच दिसांनी ताणें म्हाका अपल्या घरा आपयलो आनी म्हणालो "काणीक नेमाळ्यांत चड काम ना देकून तूं दिसाचें मिलाग्रीस क्रोस रोडांत आसच्या म्हज्या आदर्श ट्रावेल एजन्सिंत काम कर्शिगी?" हांवें पाटीं मुकार चिंतिनास्तां "हूं म्हळें"; इतलेंच.

त्ये उपरांत हांव आवीलाच्या घरांतच रावतालों, तांचेसवें जेवतालों, आवीला थावन काम शिकून हांव काम करुंक लागलों; जांव तें संपादन बरंवचें वा पासपोर्टाचें काम.

सुमार स-सात मयन्या उपरांत मणिपाल के.एम.सी.'त कंप्यूटर ओपरेटर जावन वावर कर्न आसच्या मावरीस शांतिपुरान म्हज्येलागीं संपर्क करून "म्हाका कशेंय मंगळूर व्हरय, म्हाकाय कोंकणी पत्रांनी काम करुंक उर्भा आनी आसक्त आसा" म्हणालो देकून हांवें आवीलाक ही गजाल कळयताना ताणें संतोसान जाप दिवून म्हळें; "बगलेनच म्हज्या भावाचें घर रितें आसा, मावरिसाक तूं मंगळूर हाडुंक आशेताय तर, तुमी दोगांयनी त्या घरांत राव्येता" अशें आवीलान आमकां दोन वर्स पऱ्यांत एक पयसो सयत भाडें घेनास्तां त्या घरांत रावुंक आवकास करून दिलो. मावरीस त्या वेळार 'आमचो युवक' आनी 'उमाळो' पत्राचो संपादक जावनासलो, हांव काणिकेचो सह-संपादक जावनासलों पूण 'उदेव', आनी 'आमचो युवक' पत्राच्या संपादकीय मंडळिंत आसलों तरयी आवीलान केदिंच म्हाका ताचेर कसलोच बंधड घाल्लोना.

इतलेंच न्हय, १९९० व्या काळार कोंकणी लेखकांचो एक्तार आसा कर्च्या दिशेन सुर्विलो वावर कर्च्या दिशेन त्यो जमात्यो आवीलाच्या आदर्श ट्रावेल एजन्सिच्या दफ्तरांत चल्ल्यात. वी.जे.पी.सलडान्हा, छा.फ्रा.दे'कोस्ता, ए.टी.लोबो तसले मान साहितिंक आनी तांचेसवें वावर करुंक मेळचें भाग म्हाका फावो जाल्लेंच म्हजी कोंकणी आस्त म्हणून हांव मांदून आयलां. पूण ह्या वावराक लाग्ताना सयत आवीलान केदिंच म्हाका कसलीच बंधड घाल्ली ना. आदर्श ट्रावेल्साचें नांव 'अमीत एंटरप्रायसस' म्हण बदलिल्लें देकून सभारांनी म्हाकाच 'अमीत' म्हणून आपंवचें आसलें. कित्याक म्हळ्यार चडताव जावन हांव त्या दफ्तरांत बोस्तालों, हांवच दफ्तर उग्तें कर्तालों आनी हांवच तें बंद कर्तालों मात्र न्हय, हांव आवीलाचो खास भाव म्हणून सभारांनी चिंतल्लें. तितलो मायामोगाळ आवील.

आवीलाक बिजनेसांत सभार रितिचे आर्थीक संकश्ट आयले आनी हांव तें संकश्ट लागशिल्यान पळेवन आयलों. म्हज्यान त्या वेळार कितेंच करुंक साध्य जालें ना पूण आवील रसकिन्हाथावन जायतें शिकलों. जिविताक कशें फूड कर्चें, आनी अपल्या संकश्टांक कशें लिपंवन हेरांक हासो दिंवच्यो, आनी ताचें खाल्तेंपण आनी मोवाळाय - खरेंच जावन हांवें ताचेथावन शिकुंक जायतें आसलें. त्ये उपरांत हांव पर्गांवाक पावलों.

लांब काळा उपरांत मांयगांवाक रजेर आयिल्लों, मावरिसासवें आवीलाक मेळ्ळों. पूण त्या वेळार आवीलान 'काणीक' पत्राक चलंवची जवाबदारी मावरीस शांतिपुराक दिल्ली. पूण आमचो संपर्क चालूच आसलो. थोड्याच वर्सांधीं आवीलाच्या पुताचें 'अमीत रासकिन्हाचें' लग्न जालें आनी भलायकी मागची जवाबदारी आवीलान म्हाकाच दिल्ली.

म्हाका कोंकणी साहित्यांत मुकार वचुंक दिशा दाकयिल्लोच आवील रासकिन्हा म्हणच्यांत म्हाका अभिमान आसा. पूण आवील रासकिन्हा तसल्यान केल्ल्या पद्दा पाटल्या वावराक कोंकणी लोक आज याद कर्ता आनी मान कर्ता तर खरेंच जावन म्हाका कोंकणिचेर अभिमान भग्ता. आवील रासकिन्हान केल्लो कोंकणी वावर खरोच जावन होगळाप दिंवचो. केदिंच कोणायलागीं अपल्या वावराची बडाय ताणें उचारल्ली ना, वा कोंकणेक लागून अपूण दुबळों जालों म्हळ्ळीं पिसांट सिंतिमेंतां उचारुंक नांत. आवील एक उंचल्या चिंत्पाचो सादो वेक्ती.

काणीक कोंकणिचें माणीक, आनी तें माणीक कर्च्या दिशेन पर्द्या पाटल्यान वावर केल्ल्या समेस्तांक म्हजे अभिमानाचे नमान. आवील रासकिन्हान दिल्ल्या अमोलीक कोंकणी सेवेक म्हजे हजार नमान. आनी ताका हो मान फावो केल्ल्या दो।आसटीन प्रभू तशेंच मित्र एच्चेमान 'पयलो पत्रिकुध्यम पुरसकाराक' जोक्त्या वेक्तीक विंचला. ही कोंकणीक खरीच एक वर्ती दाधोसकाय म्हणून मांदतां. आवील रासकिन्हाक परबीं आनी रास रास उल्लास.

## आवील रास्कीन्हा आनी काणीक

### ऐक मोटवी अ्ळोक



**काणीक**: सुर्वात जाल्लें वरस: १९६५

**संपादक**

१९६५–७०: **आंद्रू मेंडोन्सा**
१९७०–७२: **हेरिबोय, कुलशेकर**
१९७२–७४: **सिरिवंत**
१९७४–७५: **आसटीन प्रभू/सिज्येस**
१९७६: **हेरिबोय, कुलशेकर**
१९७६: **सह–संपादक जावन सुर्वात**
अक्तोबर १९७७–९७: **आवील रस्कीन्हा**: संपादक, सांताक्रूज प्रकाशनाचो प्रकाशक जावन सुर्वात
२०००–०७: **मावरीस शांतिपूर**

**सह–संपादक**

**विक्टर अलवारीस** (१९७७–८२ पर्यांत)
**रिचार्ड अलवारीस** (१९८३ – १९८५)
**पंचू बंटवाळ** (१९८५–८७)
**विन्सेंट पिंटो कुलशेकर** (१९८७–८९)
**वल्ली क्वाड्रस** (१९८९–९२)
**मारियेट रासकिन्हा** (१९९२–९७)

## आवील रासकिन्हाचें कुटम

व्हडिलां: **सेबासटीयन रासकिन्हा** & **सेवरीन आलवारीस**

भाव–भयणीं:

- एमिलिया रासकिन्हा
- ऐसाक रासकिन्हा
- सेलीन रासकिन्हा
- मोली रासकिन्हा
- सिसटर नाझ्रीन
- हेरी रास्किन्हा
- चारल्स रासकिन्हा
- वीडा रासकिना
- आवील रासकिन्हा



पतीण: **मारियेट डिसिलवा** (रासकिन्हा)
भुर्गीं: **अमीत रासकिन्हा** & **अशीत रासकिन्हा**

**सांताक्रूज प्रकाशनाचीं पुस्तकां**

- **म्हाका निर्मिलेली चली** (कादंबरी, जो.सा.अलवारीस)
- **मरिना** (कादंबरी, हेरिबोय)
- **क्रांती** (कादंबरी, ल्यान्सलोट चीकमगळूर)
- **सरोप** (कादंबरी, ल्यान्सलोट चीकमगळूर)
- **कांव्यांनी भांद्ल्लें वॉड्त** (कादंबरी, दो. एडवर्ड नज्रेत)
- **हें स्त जाल्नासा** (कादंबरी, स्टेन अगेरा)
- **विलफी रेबिंबसाच्या पदांचो ८वो छापो**
- **मायाकाचें भुंयार** (कादंबरी, विकटर रोड्रिगस)
- **सिरेनाचो जुदास** (कादंबरी, एडवीन जे.एफ. डिसोज)
- **वांकड्यो वाटो** (वैग्यानीक कथा, सुनंद)
- **दुस्मान पूण मोगाचो** (कादंबरी, वी.जे.पी.सलडान्हा)
- **काजितोर काणे** (कादंबरी, वी.जे.पी.सलडान्हा)
- **साळियाचें जाळ** (कादंबरी, विकटर अलवारीस)
- **विंचणार काणियो** (कथा संकलन)

आवील रास्किन्हाची कोंकणी साहितीक सुर्वात: १४ वर्सांच्या प्रायेर लेखनां, कथा, अपरूप कविता बरवन सुर्वात केली. काणीक, राक्णो, सेवक, तशेंच हेर नेमाळ्यांनी तशेंच वीज, पयणाई जाळिजाग्यांनी बर्पां पर्गटल्यांत.

तर्जण वावर: **फा. पियोची जिण्ये कथा** (१९९३–९४)
**साधू सुंदर सिंघाची कथा**

- आवील रास्किन्हाच्या कोंकणी कवितेंचें पयलें पुस्तक **'काळजा भितर्ले रंग'** कन्नड आनी नागरी लिपियेंत वेगींच पर्गटुन येंवच्यार आसा

## आवील रासकिन्हासवें चलयिल्लो संवाद

**कोंकणी पत्रिकुध्यमाक येंवचें चिंतप कशें उदेलें?**

म्हजो व्हड भाव हेरिबोय कुलशेकर मित्र, झेलो तशेंच हेर नेमाळ्यांनी सराग बरयतालो. घरांत सक्कड्क्तियाक कोंकणी नेमाळीं येतालीं जाल्ल्यान तीं वासची सवय म्हाका म्हज्या ल्हान प्रायेरच सुरू जाली. त्ये उपरांत कोंकणी समाजेखातीर हांवेंय कित्याक कितेंय करुंख न्हजो म्हळ्ळें चिंतपयी उदेलें. हांव बी.कोम. हांवेंयी बरंव्क सुर्वात्तें, क्रमेण व्हडा भावान संपादकपण चलयिल्लें 'काणीक' कोंकणी नेमाळें चलंवची हुमेद आनी आसक्त उदेली. अशें कोंकणी पत्रिकुध्यमांत म्हजी सुर्वात जाली.

**काणीक नेमाळें तुमी चलवन आस्ताना कोंकणिंत कसलें नवेंसांव तुमी हाडलें?**

पयल्या च्यार वर्सांनी नेमाळ्याचो प्रसार चडय्लो.. कोंकणिंत त्या वेळार राकणो, पयणारी, मित्र, सेवक अशें वेवेगळीं नेमाळीं लोकामोगाळ जावनासलीं पूण 'काणीक' एक वेगळ्याच प्रकाराचें वाचप वाचप्यांक दीवंक सकलें. साहितीक म ; वैविध्यया, कथा निरूपणेंत वेवेगळे प्रयोग वाचप्यांक चडीत आसक्त करुंक लाग्ताना काणीक दीस गेल्लेपरिंच लोकामोगाळ जावन आयलें. विजेपी सल्डान्हा, जो.सा. अलवारीस, हेरोल्पियूस, सुनंद, मार्क टेरेन्स, हेमाचार्य, स्टॅन अगेरा, विक्टर रोड्रिगस आंजेलोर, एड्वीन जे.एफ. डिसोज तसल्यांचें योगदान हांतूं भोव महत्वाचें.

**काणीक नेमाळें तुमी वीस वर्सांच्याकी चड तेंप चलयलें, तुमकां भोव दाधोसकाय दिल्ल्या संगतेविशीं कांय सांगश्यात?**

काणीक नेमाळ्या मुखांत्र जायत्यांनी अपली साहितीक सुर्वात केल्या आनी आज कोंकणिंत ते पर्जळ्ळ्यात/पर्जळून आसात. कानडिंत भोव नांव वेल्ले ना.डी'सोज, तशेंच लोकामोगाळ पदां घड्णार विल्फी रेबिंबस हाणीं कोंकणी साहित्याची सुर्वात केल्लीच काणीक नेमाळ्यामुखांत्र म्हळ्ळें म्हाका एक संपादक जावन भोव दाधोसकाय दिल्लें म्हण्येत.

**एक नेमाळें चलयतास्ताना कसलीं सर्व शर्तां फूड करुंक पडलीं?**

तूं अडेज वर्सां सह-संपादक जावनासलोय देकून तूं थोड्या संकश्टांक जाणांय. दीस गेल्लेपरिंच एका वाटेन वाचप्यांचो संको (मेजणी) देंवोन येताना, दुस्रे वाटेन मोलां (पेपरां, तशेंच हेर खर्च) चडून येताना नेमाळें चलंवचें खरेंच एक साहस अशें भगुंक लागलें.

**कोंकणी पत्रिकुध्यमाक देंवोन कितेंय पश्चाताप (खेद) आसा?**

भिल्कूल ना, हांव कोंकणी पत्रिकुध्याक देंवताना आसली परिगत वेळाकाळानुसार बदल्ली देकून हांवें काणीक चलवंक मावरीस शांतिपुराक जवाभदारी वोप्सून दिली.



(वल्ली क्वाड्रस, आस्टीन प्रभु, पंचु बंटवाळ, आवील आनी मारियेट रास्किन्हा)

---



मानेस्त आवील रसकीन्हा 'काणीक' नेमाळ्याचो संपादक जावन आस्तां, मटव्या काणियांच्या संसारांत पांय दवरन लिकुंक अरंभ केल्ल्यां पयकी हांवयी एकलों. आवील रसकीन्हाची साहितीक सेवा मानून घेवन **पत्रिकुध्यम पुरसकार** दीवन मान केल्ल्या ह्या सुवाळ्यार, कोंकणेंत लिकुंक म्हाका आरंभीक प्रेरण जाल्ल्या ताचो हांव काळजाथावन आभार मानतां.

**– चेतन कापुजीन**

(सेवक संपादक)

## कथापाठ सांखळ – III

(मायकल डी'सोज दुबय हाच्या सहकारान)

## समकालीन कथाकारांच्या कथांचेर तुलनात्मक अध्ययन

१. ९ जुलाय २०२२
**डॉ. एडवर्ड नाझरेथ** आनी **गोकूलदास प्रभू**
(स्मिता शेणय)

२. १६ जुलाय २०२२
**हेमा नायक** आनी **माया खरंगटे**
(कन्सेप्टा फेर्नांडीस आलव)

३. २३ जुलाय २०२२
**एडवीन जे.एफ.डिसोज** आनी **वल्ली वग्ग**
(वल्ली क्वाड्रस)

४. ३० जुलाय २०२२
**पुंडलीक नायक** आनी **एन. शिवदास**
(कृपाली नायक)

५. ६ ऑगस्ट २०२२
**दामोदर मावजो** आनी **मीना काकोडकार**
(राजश्री सैल)

६. १३ ऑगस्ट २०२२
**वल्ली क्वाड्रस** आनी **एच्चेम**
(योगिता वेर्णेकर)


७. २० ऑगस्ट २०२२
**डॉ. जयंती नायक** आनी **वसंत सावंत**
(मा. जेसन पिंटो)

MERIT FREIGHT SYSTEMS CO. LLC

## कोंकणी कथांचेर तुलनात्मक अभ्यास: कथापाठ वेबिनार सांखळ III

कोंकणी मोटव्या कथांचो इतिहास शंबर वर्सांचो आसा; रोमी लिपियेंत सुरवात जावन कानडी लिपियेंत तशेंच उपरांत नागरी लिपियेंत, मलयाळम लिपियेंत बरयल्ल्या कोंकणी कथांचो कोंकणी साहित्यिक अभ्यास करपी विद्यार्थ्यांनी अभ्यास करुंक जाय ह्या इराद्यान आशावादी प्रकाशन आनी उजवाड पंद्राळें हांच्या मुखेलपणाखाल फाटल्या तीन वर्सां आदीं सुरवात केल्ल्या राश्ट्रीय पावंड्यावयल्या वेबिनारांची तिसरी सांखकळ जुलाय ९ तारकेर (शेनवार) सांजेच्या ४:३० थावन ६:०० मेरेन जाली.

'कथापाठ – सांखळ III' उक्तावण मा. बा. मायकल सांतुमायोर (मिलाग्रीस कॉलेजिचे प्रिन्सिपल) हाणीं करून 'कोंकणिंतल्या भोव उत्तम कथांचो चडांत चड अभ्यास करची गर्ज आसा आनी ते दिशेन वावर करपाची गरज आसा' असो संदेश दिलो.




जुलाय ९ तारकेर पयलें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत डो. एडवर्ड एल नाझरेथ आनी गोकूलदास प्रभु हांच्या कथांचेर तुलनात्मक अभ्यास करपी बेसेंट कोलेजिच्या पत्रिकुध्यम विभागाची मुखेल बाय स्मिता शेणय हिणें 'व्हडलें फेस्त' आनी 'आरा ͜ ' कथांचेर खोलायेन केल्लें अभ्यास लेखन सादर केलें.



जुलाय १६ तारकेर दुसरें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत बाय हेमा नायक आनी बाय माया खरंगटेच्या कथांचेर बाय कन्सेप्टा फेर्नांडीस आळवान खोलायेन केल्लें अभ्यास लेखन सादर केलें.




जुलाय २३ तारकेर तिसरें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत बाब पुंडलीक नायक आनी बाब एन. शिवदास हांच्या कथांचेर बाय कृपाली नायक हिणें खोलायेन केल्लें अभ्यास लेखन सादर केलें.




जुलाय ३० तारकेर चवथें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत बाब एडवीन जे. एफ डी'सोज आनी बाब वल्ली वग्ग हांच्या कथेंचेर बाब वल्ली क्वाड्रसान खोलायेन केल्लें अभ्यास लेखन सादर केलें.




ऑगस्ट ६ तारकेर पांचवें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत बाब दामोदर मावजो आनी बाय मीना काकोडकराच्या कथांचेर बाय राजश्री सैलान खोलायेन केल्लें अभ्यास लेखन सादर केलें.




ऑगस्ट १३ तारकेर सवें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत बाब वल्ली क्वाड्रस आनी बाब एच्येम पेर्नालाच्या कथेंचेर बाय योगिता वेर्णेकरान खोलायेन केल्लेंअभ्यास लेखन सादर केलें.




ऑगस्ट १३ तारकेर सातवें वेबिनार जालें, ह्या वेबिनारांत बाय जयंती नायक आनी बाब वसंत सावंताच्या कथांचेर म. बा. जेसन पिंटोन खोलायेन केल्लें। अभ्यास लेखन सादर केलें.


गोंयच्या कार्मेल कॉलेज, पिलार फा. आग्नेल कॉलेज, धेंपे कॉलेज, गोंय विश्वविद्यालय, श्री मल्लिकार्जून कॉलेज तशेंच मंगळूर थावन मिलाग्रीस कॉलेज अशें वेग-वेगळ्या राज्याच्या साहितिक अभिरूच आशिल्ल्या कोंकणी विद्यार्थ्यांनी तशेंच वरिश्ट कथाकारांनी ह्या वेबिनारांनी भाग घेवन कोंकणी कथेक लोकांलागीं पावयचे दिशेन वावर करूंक उलो दिलो.

ह्या सात वेबिनारांनी सादर जाल्ले प्रबंध कन्नड आनी नागरी लिपियेंत एका ई-पुस्तकारुपान ऑक्टोबरचे २ तारकेर आयोजित केल्ल्या राश्ट्रीय पावंड्यावयल्या वेबिनारांत उजवाडाक येवपाचे आसात.

कथापाठ तिसरे सांखळेक फाटबळ दिवपी मानेस्त मायकल डी'सोज आनी कुटुंब, दुबय. हांकां आमचे खास दिनवास.

## कोंकणी कथेंचेर राश्ट्रीय वेबिनार: कथाविहान

आशावादी प्रकाशन आनी उजवाड पंद्राळें हांच्या जोड पालवाखाल कोंकणी मोटव्या कथांचेर केल्लें राश्ट्रीय पांवड्याचें वेबिनार २ ऑक्टोबर (आयतारा) सांजेर ४ थावन ६ मेरेन जालें.



बाय दक्षिता साळगांवकार हिणें सगळ्यांक येवकार दिवन कथाविहान आयच्या कोंकणी साहित्यिक वर्तुळांत कित्याक गरजेचें हें विस्तारान सांगून हें सत्र चलयलें.




उद्यमी तशेंच कोंकणी गावपी, अभिनेतो मानेस्त जोसेफ मथायस हाणें उक्तावण करून कोंकणी साहित्याक डिजिटल माध्यमांत उंचायेचो पांवडो दिंवचे दिशेन वावर करचेखातीर समेस्तांक उर्बेभरित संदेश दिलो.

उजवाड पंद्राळ्याचो संपादक. मा. बा. रॉयसन फेर्नांडिसान येवकार उलवप करतना, कोंकणी साहित्यांत मोटव्या कथांचेर वावर करची बरीच गरज आसा आनी ते दिशेन राश्ट्रीय पावंड्यार एक वेदी तयार करचेपास्त कथापाठ मोहीम खास सुफळ जाल्या अशें सांगलें. फाटल्या तीन वर्सांनी मांडून हाडलेल्या तीन कथापाठ सांखळेंच्या अठरा-वीस वेबिनारांनी तें कार्य केलां अशें सांगून फकत एकाच प्रांतांत सीमीत जायनास्ताना हेर प्रांतांच्या कथाकारांची वळख आनी तांच्या साहित्याचो अभ्यास करुंक आमकां मेळल्ली संद, खास करून तरणे पिळगेक तिचो 'खास लाव जातलो अशीं उतरां प्रकट केलीं.


बाब शैलेन्द्र मेहतान दोन अध्ययन पुस्तकांचो थोड्याभितर परिचय करून हीं दोन पुस्तकां दोन लिपिंनी (कन्नड आनी नागरी) आसून तीं व ˙ चार पुस्तकां जातात अशें सांगलें.





'चल दोन चंद्रांक' (समकालीन कथाकार बाब एडवीन जे.एफ.डी'सोज आनी बाब वल्ली वग्गच्या चार कथांचेर वल्ली क्वाड्रसान केल्लें तुलनात्मक अभ्यास पुस्तक डिजिटल विमोचन करून) ते विशीं आपल्या प्रास्ताविक उलवपांत उलयतना तशेंच डॉ. प्रकाश पर्येंकार (गोंय विध्यापीठाच्या कोंकणी विभागाचो आदलो मुखेली तशेंच राश्ट्र पुरस्कार जिकपी कथाकार) हाणीं आमी असलो कोंकणी वावर एकामनान केलोना तर खरेंच आमी आमच्या वर्तुळाभितर बोन्साय जावन उरतले अशें सांगलें.



'कथाविहान'(समकालीन कथाकारांच्या कथांचेर केल्ल्या सात तुलनात्मक अभ्यास लेखनाच्या पुस्तकाचें डिजिटल विमोचन करून ह्या पुस्तकाचेर उलयल्ल्या डॉ. किरण बुडकुले (गोंय विध्यापीठाच्या इंग्लिश विभागाची आदली मुखेली) हिणें खरेंच कोंकणींत उंचल्या पावंड्याचे साहित्य निर्माण करूंक कथापाठाचो वावर खूप मोलादीक अशें म्हळें.





गोंयचे कथाकार आनी कथांचेर डॉ. रेश्मा अनील खोलकार हिणें प्रबंध सादर केलो.


कर्नाटकाचे कथाकार आनी कथांचेर बाय लवी गंजिमठ हिणें प्रबंध सादर केलो


महाराश्ट्राचे कथाकार आनी कथांचेर बाब हिलरी डिसिलवान प्रबंध सादर केलो


केरळाचे कथाकार आनी कथांचेर बाय नमृता पी किणी हिणें प्रबंध सादर केलो

डॉ. फ्रेड्रीक क्वाड्रस स्मारक आशावादी प्रकाशनाचे डिजिटल माध्यमाच्या वावराचे २०२२ वर्साचे पुरस्कार जिकप्यांचीं नांवां बाय मोनिका डे'सा मथायस हिणें जाहीर केलीं;


<u>पयलें स्थान</u>: **बाय योगिता वेर्णेकरान** वेबिनार ६ चेर सादर केल्ल्या प्रबंधाक (वल्ली क्वाड्रस आनी एच्चेम हांच्या कथांचेर केल्लोअभ्यास)
<u>दुस्रें स्थान</u>: **बाय कृपाली नायक** हिणें वेबिनार ३ चेर सादर केल्ल्या प्रबंधाक (पुंडलीक नायक आनी एन. शीवदासाच्या कथांचेर केल्लो अभ्यास)
<u>तिस्रें स्थान</u>: **मा बा जेसन पिंटोन** वेबिनार ७ चेर सादर केल्ल्या प्रबंधाक (जयंती नायक आनी वसंत सावंताच्या कथांचेर केल्लो अभ्यास)

बाब मेलवीन रोड्रिगसान बाय कॅथरीन रॉड्रिग्स आनी तिच्या साबार साहित्यीक वावराची वळख करून तिच्या ५० कथांच्या पुस्तकाचेर उलवन 'कॅथरीन रॉड्रिग्सच्यो मोटव्यो कथा' पुस्तकाचें डिजिटल विमोचन केलें.





बाय डॉ. जयंती नायकान बाब वल्ली क्वाड्रसाच्या २५ कथांच्या पुस्तकांचें (सांकव; कन्नड आनी नागरी लिपियेंत) डिजिटल विमोचन करून कोंकणी कथा साहित्यांत बाब वल्लीन केन्नाच अपलें स्थान घेतलां आनी ते नदरेन ताच्यो सबार कथा उत्कृश्ट कोंकणी कथांनी मेजुंक येतात देखून हो सांकव फकत दोन प्रदेशांचो मात्र न्हय, तर दोन विचारांचो, दोन तत्वांचो, दोन सिद्धांताचो अशें म्हणलें.


बाब वसंत सावंत हाणीं वल्ली क्वाड्रसान लिपियंतर आनी संपादन केलेल्या राश्ट्रीय पावंड्याच्या तिसऱ्या (सूरयो उदेला) पुस्तकाची वळख करून ह्या पुस्तकाचें डिजिटल विमोचन केलें .




ते उपरांत हाजीर आशिल्ल्या डॉ. ऑस्टिन प्रभून ह्या वेबिनारा थावन खरेंच खूप शिकुंक आवकास मेळ्ळो आनी ते दिशेन वावर केल्ल्या आशावादी प्रकाशनाक आनी उजवाड पंद्राळ्याक दिनवासलें.
बाब उब्ब मूडबिद्रीन कोंकणी बरोवप्यांनी पयलें आदल्या कथाकारांचें साहित्य वाचुंक जाय अशें सांगलें.
मा. बा. रॉयसन फेर्नांडिसान दिनवास उत्तायले.

**कोंकणी निरंतरी... पयणारी.**
कन्नड-नागरी-रोमी लिपिंनी कोंकणी साहित्य परगट कर्चो कोंकणिंतलो पयलो तशेंच एक मात्र जाळिजागो: www.poinnari.com
www.poinnari.com




हें कथाविहान वेबिनाराचें सूत्रसंचालन बाय दक्षिता साळगांवकर आनी बाब शैलेंद्र मेहता हाणीं केलें.



कथापाठ शिंकळ ॥। चलंव्क आधार
दिल्ल्याक धिन्वास तुमकां
**मानेस्त माय्कल डिसोज दुभय**

पड्साद


वल्ली क्वाड्रसाच्या संपाडकीयांचें तिसरें

आशावादी प्रकाशनाचें ५०वें पुस्तक


प्रस्तावन: राजु नाय्क गोंय



## फ्रेड्रिक क्वाड्रस शंखरपुर स्मारक आशावादी प्रकाशनाचो डिजिटल पुरस्कार २०२१



**बाब वेरोनिका आंटनी फेर्नांडीसाच्या**




**'माडाथाव्न तेलाखणी परयांत'** (मूळ इंग्लीश, कोंकणीक तर्जण आनी लिपियंतर: वल्ली क्वाड्रस) पुस्तकाक




## फ्रेड्रिक क्वाड्रस शंखरपुर स्मारक आशावादी प्रकाशनाचो डिजिटल पुरस्कार २०२२



पय्लें: **बाय योगिता वेर्णेकार गोंय**
(कथापाठ ||| वेबिनार ६ च्या प्रभंधाक)



दुसरें: **बाय कृपाली नाय्क गोंय**
(कथापाठ ||| वेबिनार ३ च्या प्रभंधाक)



तिसरें: **मा बा जेसन पिंटो उद्यावर**
(कथापाठ ||| वेबिनार ७ च्या प्रभंधाक)

## केवीन डिमेल्लो स्मारक

## पय्णारी वर्साचो कथाकार २०२३



(रुपय १०००० इनामाक फावो जाल्ल्या कथाकाराचें नांव आनि इनाम जोडुंक आस्चि कथा येंव्च्या पय्णारी कोंकणी डिजिटल साहितीक जर्नलांत पर्गटुन येतली)

इनामांक आधार दिल्ल्याक धिन्वास

- मानेस्तीण माग्दलीन बार्बोज
- मानेस्तीण मोनिका डेसा

# धिन्वास तुमकां

मानेस्त रोनाल्ड कुलासो
मानेस्त माय्कल डिसोज
मानेस्त जेम्स मेंडोन्सा
मानेस्त आस्टिन डि'सोज प्रभु
मानेस्तीण माग्दलीन बार्बोज
मानेस्तीण मोनिका डेसा
मानेस्त लारेन्स बार्बोज
मानेस्त जोसेफ मथायस
एनिग्मा, गोंय
आस्सिसि प्रिंटिंग प्रेस्स
बाय अंजु साखर्दांडे
बाय क्वीनी वेगस
बाय राजश्री सैल
बाय कन्सेप्टा फेर्नांडीस आळ्व
बाय लिनेट डिसोज
बाब हिलरी डि'सिल्वा
दो. पूर्णानंद चारी
बाब डेनीस वास, गोंय
मा. बा. चेतन लोबो
मा. बा. रोय्सन फेर्नांडीस

कथा

# गळ्याक एक दांत्या फातोर (चेतन कापुजीन)

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहितीक सर्तींत पयलें इनाम जोडलली कथा



स्थळीय टिवी चानेलांनी आदल्या रातिंथावन 'ब्रेकिंग न्यूस' चालू आसलें: 'हीगू उंटे... वैद्यकीय लोकक्के सवालू... वैज्ञानीक लोकद अच्चरीय प्रतिक्रिये... वैद्यरू सोतू कैबिट्टिद रोगियू दिढीर गुणमूख... जनजंगुळियन्नू नियंत्रिसलू हेणगाडुत्तिरूव पोलीसरू...' चानेलांच्ये आंकर बदलल्यारी, प्रसार जांवचे खबरेचो सार होच्च आसलो. टिवी परद्याच्येर लोका जम्याचीं पिंतुरां खिणान येवन वेतालीं. रात उज्वाडचे भितर, ही खबर स्थळीय टिवी चानेलां थावन एक दोन राषट्रीय चानेलांकयी पावल्ली. रातीं तडव करन छापुंक अरंभ करच्या एक दोन स्थळीय दिसाळ्या पत्रांच्या मुकल्या पानांनीय खबर छापून आयिल्ली. ओ रे, दीसभर लोकान कितें चिंतिजे, उलयजे आनी वाद चलयजे म्हळ्ळें टिवी चानेलांनी आनी दिसाळ्यांनी नख्खी करन जाल्लें...

संगम नगर दक्षीण कर्नाटकाचो एक ल्हान गांव. नगर म्हणचेतसलें कांय थंयसर नातल्लें. बहुतेक हिंदू लोक वस्ती करच्या गांवांत लगबग साट-सत्तर कथोलीक कुटमां वस्ती करच्ये सुवातेक ताणिच्च 'सवेरा नगर' म्हण वोलायिल्लें. गांवच्या हेर समडतिच्यांक हें नांव परकी तरी, कथोलीक हक्कान आनी हठान म्हळ्ळेबरी हेंच नांव वापरताले. 'आमच्या पुर्वजांनी हें नांव दवरल्लें' म्हण व्हडा हेम्म्यान म्हणताले. त्या कथोलीक घरां मधेंच आसल्ले धाकटुले इगर्जेचो पात्रोन सां फ्रान्सीस सावेरच्च जाल्ल्यान सवेरा नगरांत लगबग हरेका घरचे ओणदेर सावेराचें पिंतूर सोभतालें. तितलेंच न्हय, जायत्या कुटमांनी 'फ्रान्सीस' वा 'क्सेवियर' नांवाच्ये दादले आनी चले आनी 'फ्रान्सेसका' नांवाच्यो स्त्रीयो आनी चलियो आसल्ल्यो.

सवेरा नगराचो कथोलीक लोक आस्त-पास्त आसोन ग्रेस्त न्हय तरी, चडावत लोकाक दिस्पडतें खावंक जेवंक उणें नातल्लें. आपलिच्च कृषी नातल्यारयी जायते दादले आनी स्त्रीयो हेरांच्या शेतांनी वावूरतालीं; थोड्यो स्त्रीयो बस्सार धा मैलां पयशिल्या गार्मेंट कार्खान्याक वचून आपलो दिस्पडतो ग्रास जोडतालीं. हफ्तोभर वावूरन, आयतारा सकाळीं मीस-मागणें संपवन उपरांत कुटमासंगीं दीस मझेन सारतालीं. आदिंथावन, हिच्च तांची दिस्पटी.

सवेरा नगराच्या डेवीड आनी जया जोड्याचें एकलेंच धूव फ्रान्सेसका. सांत फ्रान्सीस सावेराक आंगवण केल्ल्या उपरांतच्च तें जल्मल्लें तरी तें भलायकेभरीत रितीर वाडोन आयलें ना. असकत हात आनी पांय घेवन जल्मल्लें तें आपल्या पांयांचेर उभें रावुंक सकलेंच ना. वरसां आट उतरल्यारी, धरणीरच्च चरोन आस्तालें. कोणेय हाताचें बळ दिल्यारी, एक दोन मेटां काडतालें. डेवीड आनी जयान ताका जायत्या दाक्तेरांलागीं व्हरन वकात आनी चिकित्सा केल्ली तरी, कांय बरेपण लाबल्लें ना. दाक्तेरांनी 'चडीत कांय बरेपण जांवचें ना' म्हण हात सोडल्लो. तरी आयलेवार एका गांवटी पंडितान दिल्लें तेल फ्रान्सेसकाच्या हातां पांयांक पुसून बरेपणाक तीं आशेवन आसल्लीं.

तो आयतार डेवीड-जया आनी फ्रान्सेसकाक हर्शेंचेबरिच्च उदेल्लो. सकाळीं मिसाक वचोन, उपरांत सांतेक वचोन तीं आयिल्लीं. आयतारा सांतेथावन जेवणाक कांय विशेस हाडची सवय. आजयी तशेंच जाल्लें. रातचें जेवाण जावन निदतना वोरां धा उतरल्लीं... खिणान तांकां निदेन वेंगल्लें...

... पूण सकाळ जातना नवाल घडल्लें...!! आपणाचे बगलेन निदोन आसल्लें फ्रान्सेसका नातल्लें पळेवन जयाच्या काळजाच्ये उडियेचो वेग चडलो. मुकलें दार उगतें आसलें पळेवन तें घाबरलें. 'कोणे दार उगतें केलें? फ्रान्सेसका खंय गेलें?' सवाला वयर सवाल ताचेहुजीर उभें जातना ताची दीषट झालाच्या कोनश्याक वचून तें मिटाखांब्याबरी स्तब्द जालें...

झालाच्या कोनश्यार फ्रान्सेसका उभें आसलें; तें दस्मिच्या झाडांच्या फुलांचेर हात चरवन आसलें...

फ्रान्सेसका... तें खिळंचलें. ताच्या ताळ्याक पाटीं घुंवल्लें फ्रान्सेसका माम्मी... म्हण ताच्येकुशीन धांवोन आयलें.

फ्रान्सेसका... तूं चल्ताय? तुका चलोंक जाता?... जयाच्या सवालांक जाप दिनास्तां, फ्रान्सेसका परत फुलां झाडांकुशीन धांवलें.

जयाक आपल्याच्च दोळ्यांक पात्येवंक कषट मारलें.

अळे... हांगा पळे ने?.... आमच्या फ्रान्सेसकाक पळे ने... जया बोबाटलें. ताच्ये बोबेक एदोळच्च भायर आयिल्लो डेवीड धांवोन येवन फ्रान्सेसकाक आरावन, तुका चलोंक जाता बाळा?... देवाक अर्गां. ताणे आमचें मागणें आयकालें म्हणतना, ताच्या दोळ्यांथावन दुकांची झर व्हाळोंक लागली...

'फ्रान्सेसका चलोंक सक्ता' म्हळ्ळी गजाल 'जल्माथावन चलोंक सकनातली चली चलोंक लागली, सवेरा नगरांत अजाप घडलां. विचित्र तरी स्त!' म्हळ्ळ्या म्हाताळ्यासंगीं मुकल्या थोड्याच्च घडियांनी गांवभर विस्तारली. कथोलिकां मात्र न्हय, ट्र्याकटर मेक्यानीक जावनासल्ल्या डेविडाच्या सबार व्हळकिच्या लोकाक ही खबर पावली. थोड्याच वेळान, 'अजाप' पळेंवचेखातीर सवेरा नगराच्या कथोलीक वठारांत लोकाची खेट चडली. दनपार जायजे तर, ही खबर स्थळीय टिवी चानेल बात्मिदाराक पावोन, ही एक 'ब्रेकिंग न्यूस' जाली...

पूण हरेकल्याच्ये मतिंत आनी जिबेर एकच्च सवाल उमकाळतालें: 'इतलीं वरसां दाक्तेरांचीं वोक्तां केल्यारयी बळिषठ जायनातल्ल्या फ्रान्सेसकाच्या हात-पांयांक आवचीत कशें बळ मेळ्ळें? हें कशें जालें?' ह्या सवालाक जाप दिली फ्रान्सेसका गूण जाल्ली खबर आयकून एदोळच्च थंयसर पावोन गजाल समजोन घेतल्ल्या सवेरा नगर इगर्जेच्या पुर्वितान!

पुर्वितान बोव सूक्ष्म रितीर फ्रान्सेसकाक तपासलें आनी डेवीड-जया आनी फ्रान्सेसकाक जायतीं सवालां विचारलीं. ताणी दिल्ल्या विवरांत कांयच विशेस नातलें. हर्शेंचेबरी आदले रातीं जेवन निदोंक गेल्लीं म्हण डेविडान विवर दिलो. आदले रातीं निदोंक वेता परयांत फ्रान्सेसकाथंय कसलिच्च बदलावण पळेवंक ना म्हण ताणी स्पषट सांगलें.

तर, रातीं नीदल्ल्या उपरांत कितें घडलें...?

मतिंत चिंत्नां आटवन इगर्जेक पाटीं गेल्लो पुर्वीत, कितेंगी झळकल्लेबरी थोड्याच वेळान पाटीं येवन नीट डेविडाच्या घरच्या रांदपा कुडाक रिगून तपासणी करुंक लागलो.

काल रातीं तुमी कितें जेवल्ल्यात?

विशेस कांय ना, फकत्त शीत आनी कडी

पळेव्यां...?

जयान निसत्याच्या तोपल्याचें धांपणें उगडलें. तोपल्यांत थोडें निस्तें उरुल्लें. तोपल्यांत आसल्लें पळेवन पुर्विताचे दोळे उजळ्ळे. फ्रान्सेसका थंय जाल्ले बदलावणेचो घूट आपणाक कळ्ळो म्हळ्ळ्या जिन्सार ताणे भुजां नाचयलीं.

निसत्याच्या तोपल्यांत आनीकी दोन-चार कुडके उरुल्ले... कूरलेचे!!

ह्यो खंय थावन हाडल्ल्यो? नितळ करन हाचीं बोडकां आनी क ीं खंय उडयल्यांत पुर्वीत जापिंक आम्सरलो.

जयान पाटलें दार उगतें करन पुर्विताक घरा पाटल्या वाळचे भाजियेच्या माटवालागीं आपवन व्हेलें. वाळचे भाजियेच्या मुळांत नितळ करून उडयिल्लें म्हेळें आसल्लें... सांगाताच्च साताट क ीं कूरलेचीं! जाग्रुतायेन तांच्ये पयकी एक क ॅ ताणे विंचलें आनी एक पावटीं पयस धरन आनी दोन तीन पावटीं दोळ्यांक लागीं धरून पळयलें. कट्टें घुंवडावन हरेका दिक्कान पळयलें.

कसलोगी निगूढ मिस्तेर सोडयिल्लो जिनोस ताच्या तोंडार उदेलो, सांगाताच्च जयताच्यो हासो. घराभितर रिगून तो घरच्या मुकल्या दाराथावन भायर सरन सोप्यार आसल्ल्या कदेलार बसलो. एदोळ मंत्र घाल्लेबरी ताकाच्च पळेवन आसल्लो लोक ताच्ये भोंवतणी आतुरायेन उभो जावन ताच्येथावन येंवच्या उत्रांक अत्रेगान राकून रावलो.

तुमच्या सर्व सवालांक जाप हांगासर आसा ताणे आपल्या हातांतलें कूरलेचें क ॅ उबारन दाकयलें. आमचे फिर्गजेंत अज्याप जालां. सावेर बापान अजाप केलां. आमच्या फ्रान्सेसकाक अजापीं रितीर चलोंक केलां. ताचो ताळो अधिकारभरीत जाल्लो.

जमल्लो लोक कांयच समजनास्तां ताकाच्च पळेवन आसलो. पुर्वितान डेवीड-जया आनी फ्रान्सेसकाक मुकार आपयलें. सकडांच्याकी मुकार फ्रान्सेसका धांवोन आयलें. तांकां आपले बगलेन राववन पूरवीत म्हणालो:

आमचो पात्रोन सावेरान आमचेखातीर अजाप केलां. काल परयांत असकत आसल्लें हें आमचें धाकटुलें फ्रान्सेसका आज बळिषठ जावन चलुंक सकलां. हें कशें घडलें जाणांत? पळेया हांगासर... कितें हें?

लोक आतुरायेन कान दोळे सोडन आयकतालो...

... सादारण पांयशीं वरसां आदीं, आमचो पात्रोन फ्रान्सीस सावेर पयण करचें तारूं दरयांत कठीण वादाळाक सांपडल्लें. वादाळ तांबचीं लक्षणां नातल्लीं. ताचें पयण रिसकेर आसलें. ताणे 'वादाळ थांबचें हातेर कर' म्हण देवालागीं मागोन आपणालागीं आसल्ली क्रुसिफिक्स दरयांत उडयली. अजापीं रितीर वादाळ थांबलें. पूण ताणे आपलो खुरीस होगडायिल्लो. तो तडीक पावोन तारवार थावन देंवोन वेतना, एक कूरली आपल्या दांग्यांनी एक खुरीस घेवन रेंवेर ताच्ये कुशीन येंवची सांतान देकली. ती क्रुसिफिक्स हातांत घेवन सांतान कूरलेचेर खूरसाचो घूर्त काडलो आनी अजापीं रितीर तो घूरत आज परयांत कूरलेच्ये पाटीर आसा...

विवर आकेर करन पुर्वीत आपल्या हातांतलें कूरलेचें कवें उबारन लोकाक दाकवन म्हणालो: पळेया हो खुरीस, सांत सावेरान कूरलेक दिल्लें बेसांव. आज तोच्च खूरसाचो घूरत आसल्ले कूरलेथावन अजाप जालां. फ्रान्सेसकाच्या हातां पांयांक बळ मेळ्ळां... हें अजाप न्हय तर, हेर कितें?

पुर्वितान उबारन धरल्ल्या कूरलेच्या कट्व्यार खूरसाचो घूरत स्पषट रितीर झळकतालो. पुर्वीत कूरलेचें कवें दोनी हातांनी उकलन धरन खुर्साच्या घुर्तार हेणे तेणे भोंवडावंक लाग्तना, जमल्लो लोक 'व्हय' म्हणच्या जिन्सार तकली हालयतालो. थोडीं दिंब्येर पडतना, हेर थोड्यांनी तकली बागायली. स्त्रीयांनी आपले तकलेर पालंव वोडलो.

वाळचे बाजियेच्या माटवा मुळांत आसल्ल्या हेर कूरले कट्व्यांचेरयी असलो खूरसा घूर्त आसल्लो वा ना तें तपासुंक कोणयी मुकार सरलो ना. पुर्विताचें उतार ताणी मानून घेतल्लें!

मुकल्या थोड्याच्च वोरांनी सवेरा नगराच्या कोनश्यांत आसल्लें डेविडाचें घर खबरेचें केंद्र जालें आनी आट वरसांचें बाळ फ्रान्सेसका 'सेलेबरिटी' जालें. डेवीड-जया आनी फ्रान्सेसका पत्रकर्तांच्या आनी टिवी बात्मिदारांच्या सवालांक जापी दीवन थकलीं. पुर्वितानयी सबार सवालांक जापी दिंवची जवाब्दारी वयसून घेतली. निमाणें, भात्मिदारांच्या 'मुकार कितें?' म्हळ्ळ्या सवालाक जाप दीवंक पुर्वितान ताळो सार्को कर्तना लोकाचो गुजगुजो बंध जालो.

हें सवेरा नगर आनी संगम नगराक मात्र न्हय, सगळ्या राज्याकच्च एक विशिसट घडीत. हें आमचे फिर्गजेंत घडल्लें आमचें भाग. ह्या अजापाक कारण जाल्ल्या पात्रोन सां फ्रान्सीस सावेराच्या कूरलेच्या अवशेषाक आमी एक 'अजापवंत रेलीक' म्हण मानून घेतेल्यांव आनी मुकल्या दिसांनी तिका फावो तो मान, सन्मान फावो करुंक क्रम हातीं घेतेल्यांव. ह्या वावराक जात-कात लेकिनास्तां गांवच्या सर्व लोकान आनी अधिकारिंनी हात मेळयजे म्हण विनती करतां. पुर्विताच्या उत्रांक कानाचीं फुलां बसचेतितल्या व्हड आवाजान ताळियांचो आवाज सादलो.

हाच्ये उपरांत सवेरा नगरांत घडल्लें सर्व चरित्रेचो वांटो जालो. खुरीस आसल्ल्या कूरलेचें कवें सांबाळन दवरुंक एक भांगाराच्ये वोपेचें दर्शक (इगर्जेंत पवित्र कुमगार आराधनाक दवरुंक वापरतात तसलें – मोन्सस्ट्रेन्स) तयार जालें. मुकल्या आयतारा, 'अजापाचें थळ' डेवीड-जयाच्या घराथावन इगर्जेक बेंडा वाजपान व्हड पूरश्यांव केलो. पूरशांवार 'रेलीक' दवरल्लें दर्शक व्हडा मानान पुर्वितान इगर्जेक व्हेलें.

इगर्ज वीज दिव्यांनी आनी रंगाळ लुगटांनी सुंर्गारायिल्ली. रेलीक दवरुंक सांकुवारीर फुलां आनी जळत्या वातीं बराबर एक नवी आल्तार सजयिली. सांकुवारीर पवित्र कुमगार सांबाळन दवरचें ताबेर्नाकूल आल्तारिच्ये दाव्ये कुशीन आसलें. ताका समानांतर जावन उज्वे कुशीन नवी आल्तार तयार जाल्ली. गितां-गायानां सवें पुर्वितान सांकुवारीर चडोन हातांतलें 'रेलीक' आसल्लें भांगाराच्ये वोपेचें दर्शक आल्तारीर दवरन दोन मेटां पाटीं सरोन दिंबी मोडन तकली बागावन नमसकार केलो. आल्तार सेवकांनी हाडल्ल्या धुंपेलांत धुंप घालन आल्तारीर धुंपाचो धुंवर उटवन पुर्वितान रेलीक धुंपयली.

धाकटुले इगर्जेंत भरल्लो लोक आपले सवये परमाणे, मांडून दवरल्ल्या बांकांचेर बसनास्तां एके कुशीन (रेलीक दवरल्ले कुशीन) एकटांय जाल्लो. दारांतल्यान भितर सरचो लोकयी दुस्रे कुशीक वेचें विस्रोन रेलिकेकुशीनच्च वोंद्दोन नमसकार करतालो..

अशें सवेरा नगर इगर्जेभितर एक नवें 'केंद्र स्थान' स्थापन जालें – खुरीस आसल्ले कूरलेची रेलीक! मुकल्या दिसांनी सवेरा नगर इगर्जेंत तशें वठारांत जायती बदलावण जाली. रेलीक दवरल्ले कुशिची वोणोद उग्ती करन व्हड ग्रील बसयलें आनी

ताच्ये मुकार वाती पेटवंक व्यवस्था केली. भेट दिंवच्या लोकाखातीर रेलिके मुकल्या ग्रिल्लाक लागोन सिमेट शिटिंच्या पाक्याचो आस्रो तयार जालो. इगर्जेच्या चारांय कुशिंनी कूरलेचें कट्ट्याचीं जयत पिंतुरां स्थापन केलीं. पिंतुरां मुळांत 'तेसांवां आनी काणिको' लीकल्लो लोंकडाच्यो व्हड पेट्यो स्थापन केल्यो. सिमेट शिटिंच्या आसऱ्या बगलेनच्च भक्तीक वस्तुंचें स्टोल उगतें जालें. तांतूं कूरलेच्या कट्ट्याच्या रेलिकेचीं वेवेगळ्या गात्राचीं फ्रेम घाल्लीं आनी फ्रेम नातल्लीं पिंतुरां: ए-फोर, ए-थ्री सैज वीकऱ्याक आसल्लीं. फ्रेम नातल्ल्या रेलिकेचीं पिंतुरां शेंबर रुप्यांक विक्ताना, फ्रेम घाल्लीं पिंतुरांचें मोल अडेशीं रुप्यांथावन अरंभ जातालें. हांच्येसंगीं कूरलेचे रेलिकेचें पिंतूर आसल्लीं स्टिकरां, हेंच लेबल चिडकायिल्ल्यो तेलाच्यो सिसल्यो, कलात्मक रितिच्यो रेलिकेच्यो आरलुक्यो आनी हेर स्टोलांत लभ्य आसलीं.

फ्रान्सेसका अजापीं रितीर गूण जाल्लो दीस सोमारच्च 'रेलिकेचो दीस' म्हण नम्यारलो. हरेका सोमारा, सवेरा नगर इगरजेंत गितां, मागणें, नोवेनां चल्तना वठारांत जात्रोच जातालो. दीस पाशार जातना, तेसांवां आनी उपकार मेळल्ल्यांचीं नांवां वाचून सांगोंक पुर्विताक त्रास भोग्ताले.

पूण कूरलेच्ये रेलिकेचें थळ सरवांचें गुमान आकरसुंची एक वस्त आसल्ली – इगरजे वठाराच्या गेटिलागीं सोभचें कूरलेच्या कट्ट्याचें लगबग तीस फुटी रुंदायेचें व्हड जयत होर्डिंग. पुर्विताच्या आनी गांवच्या लोकाची विनती मानून घेवन, संगम नगराचें आडळतें चलंवच्या राजकीय पाडतिच्या मुकेल्यान तें स्पोन्सर केल्लें. मिलावाच्या फ्रेमाचेर चिडकावन लगबग पंचवीस फुटी उबारायेर आसल्ल्या त्या होरडिंगाक थोडे लाख खरचल्ले तरी, तो ऐवज 'रेलिकेक सेवा' म्हण खाल्तेपणान राजकीय मुकेल्यान दिल्ले. समाजीक माध्यमांनी ह्या जयत होरडिंगाचें पिंतूर 'वैरल' जाल्लें. ह्या पिंतुरानच्च 'सवेरा नगर' क लोक व्हळकतालो.

सवेरा नगर आनी भोंवतिंचो लोक कुरलेच्या रेलिकेच्या भक्तिपणांत बुडोन गेल्लो. तरी, कूरलेच्ये रेलिके विषयांत सवालां करचो लोकयी आसलो. तांच्या सवालांक पुर्विताची जाप तयार आसल्ली:

ही लोकाची पात्येणी. आपल्या दोळ्यांनी पळेल्लें नेगार करुंक तीं तयार नांत. फात्रांक आनी रुकांक नमसकार करन पुजा करच्या आमच्या गांवांत ह्या अजापी रेलिकेक मान दिंवचो चूकगी? लोकाक कितें जाय, फायद्याचें आनी बरें तें आमी करतांव. लोकाच्या भावाडताक विरोध वेचें सारकें न्हय.

कूरलेच्ये रेलिकेचें देवासांव अरंभ जाल्ल्या स महिन्यांनिच्च रेलिकेच्या थळाची महिमा अशी प्रसारली: ह्या अजापांच्या थळार एदोळच्च ७२ फसट क्लास आनी दोनश्यांवयर सेकेंड क्लास अजापां जाल्लीं रुज्वात आमचेलागीं आसा.

अज्यापांचें नांव आयकल्ल्याफरा लोकाच्ये कान नीट जावन, सवेरा नगराच्ये कूरलेच्ये रेलिकेची भेट करुंक लोक आयतो जातालो...

सवेरा नगरथावन लगबग साट मैलां पयस आसच्या शेरांत पुर्विताचो व्हडील म्हा–पुर्विताचें दफ्तर आनी केंद्र आसल्लें. सवेरा नगराच्ये कूरलेचे रेलिकेची महिमा म्हा–पुर्वितान माध्यमांनी आयकल्ली मात्र न्हय, सबारांनी ताका वर्दियी दिल्ली. ताणे सवेरा नगराच्या पुर्विताक कूरलेच्ये रेलिकेविशीं जाग्वणयी दिल्ली. पूण, ही लोकाची पात्येणी, हांव कितें करूं? म्हळ्ळी पूरविताची जाप ताका मेळल्ली. एक पावटीं म्हा–पुर्वीत सवेरा नगराची भेट करुंक आयिल्लो. पूण तो गांवाथावन चार मैलां पयस आस्तानाच्च, 'पुर्विताच्या लोकान' ताच्या काराक आडावन पाटीं धाडल्लें.

सवेरा नगरांत कूरलेच्ये रेलिकेचें देवासांव खळनास्तां चालू आसल्लें. एक पावटीं ह्या देवासांवाक म्हा–पुर्वितान सय घालुंक केल्यार, हें एक लोकामोगाळ आनी बोव व्हड अजापांचें थळ जातेलें म्हळ्ळी गुपीत आशा पुर्विताची. ताच्ये तकलेंत वेवेगळ्या योजनांचो दाळोच्च भरल्लो...

कूरलेचें अजाप घडोन भरती एक वरस जातना, पयल्या वारशीक दिसाक भरान तयाराय चलोन आसली. सेजारच्या प्रांताचो म्हा–पूरवीत आनी गांवच्या राजकीय मुकेल्यांक आपवणें गेल्लें.

पावसाळ जाल्ल्यान, संभ्रमाक पावस कांय अडकळ हाडीतगी म्हळ्ळो दुभाव पुर्विताक धोस्तालो. संभ्रमाक फकत्त तीन दीस उरुल्ले.... संबरमा आदल्या सुक्राराची रात ती...

'चरित्रेंत एदोळ येवंक ना' म्हणचे तसलो पावस आनी वारें सगळी रात संगम नगराचेर मारलें...

दीस उज्वाडताना, सवेरा नगरांत सबार घरांचीं पाकीं उबोन गेल्लीं, थोडीं घरां पडोन नास जाल्लीं. बोव थोडीं घरां उभे आसलीं.

सां फ्रान्सीस सावेराची इगरज धरणी समा जाल्ली!

भांगाराच्ये वोपिच्या दर्शकांत आसल्ली खूरसाच्या घूरताची कूरलेच्या कट्व्याची रेलीक पिटो जाल्ली!!

बगलेन आसल्लें पुर्विताच्या घरचें पाकें कोसळाल्लें. कोसळाल्ल्या पाक्यापंदा पडोन पुर्वीत कटीण घायेल्लो!

इगरजेच्ये गेटिलागीं उभें आसल्लें कुरलेचें होरडिंग फ्रेमा समेत कोसळोन गेटिभितर कोणेय रिगोंक जायनाशें आड नीदल्लें!!

लोकाच्ये जिबेर, अजापांच्या थळार अवघड घडलां म्हळ्ळें उतार आसलें; 'अजाप घडलां' म्हणचीं कोणयी थंयसर नातल्लीं!!!

त्याच दिसा... शेरांतल्या म्हा–पुर्वितान सवेरा नगराक नवो पुर्वीत नेमक केलो!!

---

## धिनवास



मागदलीन बार्बोज शिर्वां
आनी बार्बोज कुटम

---

कविता

## जनेलांतल्यान



धाव्या माळ्येच्या जनेलांतल्यान
मोळबाक पळवन रावला भुर्गो
पुर्तें ध्यान दीवन..

कितें पळयताय?, आवयन विचारलें
"दोन सुकणीं"
खंय आसा सुकणें?
म्हाका एकय दिसाना
भुर्ग्याचे दोळे हाल्ले नांत

जेन्ना आवय फाटीं घुंवता
मोडांच्या कोनशाथावन
तीन सुकणीं उदेतात
आनी मायाग जातात....

अवय कुजना थाव विचारी
अनिकी कितें पळेताय?
"तीन सुकणीं"



– आंड्र्यू एल. डी'कुन्हा

कविता

# ऑनलायन क्लास

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तींत पयलें इनाम जोडलली कविता



– राजश्री सैल, गोंय



हॅलो तुमकां आयकूक येता न्हय.
जॅसन, स्विझल, शलाका, शबाना.
म्हजी ऑनलायन क्लास सुरु जाता.
हय, होय आयकूक येता मीस.
लॅपटॉपच्या स्क्रिनीर भर भर करुन
एकाफाटल्यान एक चाळीस, पन्नास
भुरगीं जॉयन जातात.
म्हजी जबाबदारी वाडटा.
दृश्य अदृश्य अश्या जाळ्यातल्यान तांकां अळंग भायर
ओडून गिन्यानाच्या दारार पावोवपाचे आस्ता.
साहित्य, तत्वगिन्यान, जिणेतली नितीमत्ता हाचे अमृत चाखोवपाचें आस्ता.
हांव भरभरुन उलयता.
शणै गोंयबाब तें पुंडलीक नायक मेरेन
मदीच थांबता ह्या खेळात तांकांय गुंथपाचे आस्ता.
जॅसन तूं शणै गोंयबाबाचेर उलय हांव ब–याच गोड,
मधूर आवाजात ताका प्रस्न विचारता
जॅसन हुशार, बुदवंत, तल्लख
कानाचे रंद्रान रंद्र उक्तेंकरुनच
तो वर्गात बस्ता.

तो तल्लीन जावन उलयता.
ताचे सोंपताच
म्हाका स्क्रिनीर वॅलीस्टर दिस्ता
खूबच तेंपान तो क्लासीत जॉयन जाला
हांव ताका उलो दिता
खूबच वेळान तो जाप दिता मीस
वॅलिस्टर कळटा मरे हांव कितें शिकयता ते
तो हय म्हणटा तरी म्हाका खबर आसा
भरतालें संस्कृत नाव्यशास्त्रावेले म्हजे विवेचन
ताच्या माथ्यावेल्यान गेले आस्तलें
मीस हांव नुस्तें गरयतां
नुस्तें गरयता गरयता तुजी क्लास आयकता
म्हज्या दोळ्यामुखार ती गरी, न्हंय आनी, वॅलीस्टराल्या
भवितव्यावरी फडफडपी नुस्तें दिस्ता.
हांव वगीच रावता.
वॅलिस्टर हांस्ता अल्लड फकाणेर असो ताचो हांसो.
इतल्यात सचीन अनम्युट जाता.
मीस हांव तुजे लॅक्चर फकत आनी पंदरा मिनटा
आयकतलो आनी लॉग आवट जातलो,
म्हाका अटेंडन्स दी.
मीस हांव प्यून म्हण कामाक लागला,
बॉस येतकच म्हाका लॅक्चर आयकूंक मेळना.
हांव थंड जाता.
मुखार येवपी परिक्षा, प्रस्न पत्रिका नमुनो
हाचेर उलयत रावता.
लॅक्चर सोंपता बॅल वाजता.
म्हाका मरियमाची याद जाता.
बरेच हुशार, चलाख, तल्लख भुरगें.
हालीच ताचे लग्न ब–याच वयस्क कर्नाटकातल्या
खेड्यातल्या मनशाकडेन जालें
फाटलो एक म्हयनो ते क्लासीत ना
हांव उठून उबें रावता
जनेलाकडेन येता
मळब बरेच भरुन आयला
केन्नाय पावस पडू येता



कथा

# नियतीचो सूड (गीता नायक, गोंय)

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या
कोंकणी साहित्यीक सर्तींत दुसरें इनाम जोडलली कथा



सकयल्या गोठणांतलो तो दोन चौक्यांचो भव्य वाडो.वाड्यांत भीतर सरतनाच दोन दगडी सोपणां आनी मागीर दोन दारांचो तो व्हडलो दंरवटो. दाराक भायल्यान चावी करपाची कांयच सुविधा नाशिल्ली. पुण भितल्ले वटेन मात्र येदो व्हडलो आंडांबो आशिल्लो. पांच हात लांबयेचो तो आडांबो ह्या बुराकातल्यान दाराच्या त्या बुराकामेरेन पावतालो. दाराक आडामो घालो की भितर कोणांकच प्रवेश कठीण.

शाणूबाबाल्या वाडवडिलांनी दोनशें वर्सांपयलीं बांदिल्लें तें घर अजूनय आपली आब सांबाळून आशिल्लें. भितर सरतनांच दोनय बाजून दोन सालां.एक साल बंद आस्तालें.दुसऱ्या सालांत रोतेसांवाची कोरीव कदेलां ,कांय सेकरतारीआनी मेजां दिस्तालीं. सालाक केन्नाकाळाकफोर मारिल्लो. थंय तामडी, छताक पांचवी आनी निळी दिव्यांची कोपां हुमकळटालीं. एका वण्टीचेर गोविंदबाबाल्या वंशजांचे तर मुखावेल्या वण्टीचेर केशव बाबाले वंशजाचे पांयजेलां सोबतालीं. गोविंदबाबाल्या वणटीचेर मेल्ले गेल्ल्या जाण्टेल्यांच्यो आनी अयेव बायलांच्यो तसबीरी दिस्ताल्यो. काळ्या धव्या तसबीरींतल्या बायलांच्या कपलार लायिल्लो तामडोगुंज कुकमाचो तिबो ठळकपणे नदरेंत भरतालो. केशवबाबाल्या वण्टीचेर चडशे तरणाल्या वंशजांचे फोटे दिस्ताले. एकाय सवायशिणीचो थंय आसपाव नाशिल्लो. हीच नियती राधामावशेक खाताली.

असलो हो नावास्तिक वाडो ,बारा दिसांपयलीं येतले वतले लोकांनी भरून गेल्लो. आज हातांत उजवाती फुलां घेवन लोक येताले. बायलो सवायशिणीक माळपाक शेंवत्यांच्यो आंबोल्यांच्यो फातयो घेऊन आयिल्यो.आज दुसरेवटेनचे साल उकतें आशिल्लें. तांची सगलीं जनेलां उकतीं दिस्तालीं. सालाच्या मदीं तांबडें कापड न्हेसोवन कपळाक मळवट भरिल्ली भागरती अचळ न्हिदिल्ली. शेजरा दिवली जळटाली.साकर पिंजरय आशिल्ली . भागरती म्हळ्यार राधामावशेली सून . उजवात्यांचो वास दरवट्यांतल्यान भायर पाविल्लो. आयिल्ली गेल्ली सवायशीण तिचे कपलाक पिंजर लावन फाती माळतालीं. सगळे लोक चुरचुरतालें. अशी कशी गेली काय भागरतमावशी? केन्नांय दुयेंत पडनाशिल्ली भागरती ; अचकित काळजाच्या आतांकान गेल्ली.

"बरी गेली. सवायशीण गेली.आमकांय अशें सभाग्य मेळूं दी. "बायलो दोळ्यांक पदर लायताल्यो. हो सगळो सुवाळो माथ्यावेल्या पदराची राधामावशी पयस रावन दोळे भरून पळेताली.

तेवटेन दादले आडसरीं फुतफुतताले. "कसली सवायशीण आनी कसली कितें. हिगे घोव केऽऽऽन्ना किल्लला आस्तलो. ही मात् सवायशीण म्हण भोंवताली. हळदीकुकुम आसूं वो शिंपल्या वायण ही चुकनास्तना येताली. कोणेय आपोवंक जाय म्हण ना ,ही आपली हजर. आमच्यो बायलो हीका कुकुम लावपाक खांकुडटाल्यो पुण उलयतल्यो कशो? सगळ्यांनी तोंडाक कुलूप घाल्लें न्ही."

"याद आसा मरे त्या वरसाक हुंवार आयिल्लो तो ? तेन्नासून हिचो घोव शाणू सांपडलोच ना. शेर्त तो हुंवारासरशीं व्हांवन गेल्लो आस्तलो. कितले दीस सोदलो ताका? ताचीकूड गावलीच ना." दुसऱ्यान फोण्ण फोडिल्लें.

राधामावशेक तो दीस घ ˙ याद आसा. पयल्यादिसा हुंवारान घाल्लो सांवार आखांताचोच आशिल्लो. फाल्या येतां म्हण भायर सरिल्लो तिचो एकलो एरसुरो पूत शाणू दुसऱ्या दीसा सांजमेरेन येवंक ना.

"देवा, !म्हजो पूत बरे तरेन घरां पावूंक दी . पांचवातीचो तुपादिवो लायतां तुका. " तिणें आंगवण केली.

हुस्क्यानच तिच्या पोटांत घांस मारलो. तामयो घेवन ती फाटल्या दोंगरार धांवली. वाटेरच आडसराक कसलो आवाज काय म्हण पळयल्यार म्हामडोळाचे धूड जड जावन पडलां. ह्या दिसांनीच गियळां आस्तले कोणय जनावर. आनी चार दीस तरी तो थंयचो हालना. असो विचार करत ती फुडे सरली. वाटेरच तिका शाणूलें एक जोतें आणि कपड्यांची पोटली सापडली. हें कशें पडलें काय वाटेर? ती चिंतूंक लागली.

"त्या म्हमडोळान गिळलां तें जनावर म्हळ्यार म्हजो शाणू काय कितें."

तिचो आवरोच हुडलो. येवजूनच तिका एकदम घाम फुटलो. "शांतादुर्गे, राक गे सायबिणी" तिणें देवतेक साद घातलो. तें जोतें आनी पोटली हाडून ति?णें गुपचूप कुडींत दवरली.

हड्डुयार फातोर दवरून ती दीस मेजताली. सगळ्यांक समजत जाल्यारम्हज्या सुनेचे भागरतीचें नशीब फुडटलें. काय बरी सवायशीणीचे अलंकार घालून फिरता. शाणूचे समजल्यार घरचे कावळे कशे चोंचायतले तिका हांवे भोगल्या ती भोगावळ पुरो. तिका आनी ती नाका. दशा दशा करतले हे लोक तिचे. म्हाका पाप लागल्यार लागू. कसलीच जागमाग करची ना हांव.

म्हजें दु:ख हांवच जाणां. हे गेले तेन्ना हांव पस्तिशीची. पदराक पांच वर्सांचो पूत शाणू. जिवाणे चाबपाचे निमित्त जालें आनी म्हजो घरकार देवागेर गेलो. म्हजेर मळब कोसळलें तेन्ना .जगरहाटीभशेनसगलें साग्रसंगीत जाल्लें. कांकणां फोडप, गळ्यांतलो मणी तोडून मड्डार घालप आनी कपलाचो कुकुम वाडोवप. आवयस्! ........यादीनंच तिका गरगरिल्ल्यावरी जालें.

हांचो बारावो जालो आनी मागीलदारांत गोथ्या कुशीक म्हालो उबो जालो. ताका आयिल्लो पळोवन "आतां बोहकी जाली रे हांव " म्हणत आपणें केल्लो आकांत तिचे डोळ्या सामकाराक उबो जालो. माथ्यावेल्या पदराच्या घारूआकान हाताक धरून म्हाका तेच्या फुड्यांत बसयली. हांव फाटी फुडें जाताली पुण कोणाकच म्हजी काकुळट आयली ना. पिळ्यांपासून चलत आयिल्ली ही भोगावळ हांगाय चालू आशिल्ली. 'परदु:खम् शीतलम् ' म्हणटात . आपल्याचेर संकट ओडलें म्हणटगीरच कळटा. हाचे फुडे म्हाका बोडकी म्हण भोवचे पडटलें. तिणें आपले मऊमऊ केस होळूच सांसपिले. मुठींत घ ` धरले. केंस घ ` धरले म्हण म्हाल्याच्या काळ्जाक कितें पाझर फुडटलो? आनी फुटलोय म्हण ताच्या हातांत कितें आशिल्ले? खाटीक जसो बोकडेच्या मानेर सर्रर करून सुरी चलयता तसोच तो बायलांच्या माथ्यावेल्यान वांकोर फिरोयतालो.ओर्दी परमाण म्हाल्यान राधेचे सुंदर केंस मातीभरवण केले. माथ्यार न्हावन , दिल्ले आलवणां न्हेसून ती भितर सरली. पुताखातीर तिणें तोंड धापून सगलें सोसलें.

म्हयन्या दोन म्हयन्यांतल्यान तिका त्या म्हाल्या फुड्यांत बसचें पडटालें तेन्ना तिचे दोळे भरून येताले. केन्ना केन्ना म्हालो अशलीलपणा करपाचो यत्न करतालो पुण तिणें सहकार्य केले ना. एकदीस तिणें ताचे आंगार खवल्याकुसां घालीं तेन्नासून ताणें मान वयर काडून लेगीत पळयलें ना. कितल्यो रांडाव बायलो ताका फशी पडटाल्यो तोच जाणां. घरांत म्हाल्याची कागाळ केल्यार घरचे दादले तिजेरच दुबाव घेतले हे तिका खबर आशिल्लें. आयिल्ले प्रसंगाक खंबीरपणान तोंड दिल्यार प्रश्न अलगद सुटता हे दुसऱ्यांनी सांगपाची गरज नाशिल्ली.

राधामावशी लग्न जावन घरांत आयली तेन्नां घराचो आवाटो पळोवनच तिचेर दडपण आयिल्लें.

त्या वाड्याक दोन चौक्यो आशिल्ल्यो. . पयली सवायशीणींची आनी दुसरी रांड बायलांची. पयल्या चौकेर तांका प्रवेश बंद आशिल्लो. घोवाच्या बारां दिसांकडेनच म्हजी साटली पोटली फाटल्या चौकेर पाविल्ली.

.फाटल्या चौकेर वेल्यान कोठयेकुडींत वचूंक एक बोळ आसा. गुडूप काळखान भरला.त्या बोळांमदींच एक आडवी काळकाकूड आसा. राण्यां मस्तींतली बी आस्त. पुण त्या बि ` काळकांत ती कूड आंग चोरून बस्ता. थंयरान्न पासार जातना आंगार शिर्रकन्न कांटो उबो रावता. कित्याक कोण जाणां? बायलांचे पांय थंयसून वतना आपशेंच अडखळतात. सांगाताक कोणाकय घेतलेबगर बायलो थंयसून पासार जायनात.

रांडाव बायलांक फुडल्या चौकेर प्रवेश नाशिल्लो. कितें काय म्हळ्यार तिचेर नदर पडल्यार दादल्यांची कामां पाड पडटालीं. घोवाक खालो आतां लोकांचेर उटल्या अशें म्हणपाकय ते कमी करनाशिल्ले.

बायलांक बदनाम करपी हेच दादले त्या बायलांक जबरदस्तीन आंगापोंदां ओडटाले तेन्ना मात् तांका भश्टकार जायनाशिल्लो आनी अपशकुनय तर नाच ना.घोव नाशिल्ली बायल म्हळ्यार दांडयेवेलें जुनेर . कोणेंय काडचें आंगार ओडचें. कोठये कुडींत वतना काळख्या बोळांत जायते फावट तिका तो अनुभव आयला. कोणतरी झप्पकन् तोंड घ ` धरतालो आनी कुडींत ओडटालो. कोण तें कळनाशिल्लें. दोन फावट आकांतान प्रतिकार करून ती सुटिल्ली. मागीर मात् तिणें किरवटेक मिरसांगे पिटो दवरलो.?कदीस अशीच थंयसून पासार जातना कोणेंतरी तिका त्या कुडींत ओडली. ती सादूर आशिल्ली . मिरसांगेची पोटली तिणें ताच्या डोळ्यांर मारली. जागजूग करतनास्तना ती सटकली.

तिच्या बापोल देशचे दोळे सुजून घुघुम कसो दिस्तालो. ताची तिणें बरी खोड मोडिल्ली.तो परतो तिच्या वाटेक गेलो ना.

ही असली हळशीक नाका गे म्हज्या सुनेच्या वाट्यांक. पाड पडूं ती भोगावळ. पाल्ल पडिल्लेवरी तिणें आंग शिरशिरायलें.

हय न्ही करता शाणू गायब जावन दोन तीन म्हयने जाले आनी घरच्यांनी शाणूले दीस करपाचे थारायले. भागरतीक बोडकी करपाचेंय घरांत घाटडटालें. मागीर मात् राधामावशेन सांवार वडयलो.

"कोण म्हणटां रे म्हजो शाणू गेलो म्हण ? हाडात ताका हांगा."

"हुंवारांत व्हांवन गेलो तो. " कोणतरी पुटपुटलो.

"हुंवारांत व्हावतना तुवें पळयिल्लो ताका?"

"ना लोक म्हणटात."

"लोकम्हणटात? लोक आनी ओंक सारकीच. ते म्हणटात आनी तुमी म्हज्या पुताचे दीस करतात . कापास्ताद आसा जाल्यार प्रोव करून दाखयात. दुसऱ्याच्या संसाराक चु ी लावंनाकात."

राधामावशेंचे बुचाद पडलें आनी सगळे थंड पडले. आपलो शाणू ऋशीकेशाक साधू जावन भोंवता अशी मदीच तिणें अफवा सोडली. खरें कितें आनी फट कितें? दोळे आड मसण पाड.

म्हजो शाणू नाजल्यार कितलीशीं वर्सां जालीं .बारा दिसां पयलीं भागिरती भायर पडली. तिणें मात् अखंड अयेवपण भोगलें. भरिल्ल्या कपलान घरांतल्यान भायर काडिल्ल्या सुनेक तिणें दोळेभर पळयलें.

तिचो फोटो तिणें आज सालांत केशवबाबल्या वण्टीक लायलो. अयेव बायले कडल्यान ताका फुलां घाली , कपलाक तामडो कुकम लावन घेतलो.आज राधामावशेक घरांत बरोच मान आशिल्लो.

माथ्यावेल्या पदराची राधामावशी सालांतल्या त्या सगल्या सवायशीण बांयलांच्या पांयजेलांक पळयत मुखार सरली आनी आपली सून भागरतीच्या तसबिरीकडेन पळयत मोन्यांनी दुकां गाळत रावली. एकावटेन ती दोळे पुस्ताली खरी पुण त्याचवेळार तिच्या मुखामळावेलो सूड आनी समाधानाचो आनंद लिंपनाशिल्लो. कितली वर्सां जालीं तिच्या मनांत नियतीचो राग खदखदतालो. आमच्या वंशाक एकतरी सवायशीण दिवपाक कितें जातालें ह्या नियतीक? हांव खमकी म्हण आज पयले फावट केशवबाबाल्या वणटीचेर सवायशीणीचो फोटो लागिलो. तिच्या सुनेची तसबीर थंय पळोवन तिका थाकाय मेळली. कितलें वर्सांचो प्रवाद तिणें मोडिल्लो. आपल्यातरेन तिणें नियतीचो सूड घेतिल्लो.

---

कविता

## ब्याकटीरिया



थोड्या फळांक
लाग्तात
व्हड व्हड नांवांच्यो
आमकां समजनातलेल्या
भाषेंतल्यो...
विकाळ आनी अपायकारी
ल्हान ल्हान जीवियो
कोणां दोळ्यांक
दिसानातलेल्यो!

तसलें फळ सेवून
जर त्यो
मनशा पोटाक गेल्यो तर
जीवच काडुंक सयत
पाटीं सरनांत!

तेंच फळ जर
झडां मुळांक
घालें तर
बऱ्यान तें वाडोन
शेंभर वांट्यानीं
फळ दीवंक सकत!



**– सलोमी, मियापदव**

कथा

# अंतू खुरीस जल्मला....!

– प्रसन्न निड्डोडी, मुंबई

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत तिसरें इनाम जोडलली कथा



म्हजी वस्ती मुंबयतल्या बोरिवलिंत राज आपार्टमेंटांत दूसऱ्या माळयेर आसल्ली. हांवे थंय फ्लॅट घेवन चडुणें बारा वर्सां जाल्लीं. त्याआदींआमीं भाड्याक थंय हांगा रूमा बदलून आसल्ल्यांव. म्हजें लग्न जावन सुमार धा वर्सांउपरांत हें स्वताचें फ्लॅट केल्लें. हांव काम कर्च्या कंपनीच्या मेनेजराच्या उदारमनांवरवीं रीण घेवन हो फ्लॅट बोरिवलिंत करुंक साध्य जाल्लें. मुंबयत एक ल्हानशें फ्लॅट ट कर्चें म्हळ्यार सगळें जीवन्च आडव दवरलेलेपरीं!.

आमकां दोग चेर्कें. म्हालगडो कालेजिंत आक्रेचे वर्सांत तर धाकटो इक्रावेंत शिकाप करून आसल्ले. म्हजी पतीणय काम करताली जाल्ल्यान दीस काडुंक वर्ते कश्ट म्हण आमकां भगल्लेंना. पूण थंय हांगा म्हण धा वर्सां भर रुमां बदलुंक काडल्ले कश्टच व्हड दिस्ताले!.

म्हजो सेजारी गणेश मोरे आनी ताचें कुटाम येवन कांय चार वर्सां संप्तीत. मोरेचो एक पूत चोवते क्लासिंत शिक्तालो. मोरे सर्कारी दफ्तरांत कामाकआसल्लो. ताची पतीण राधा घर सांबाळताली, आतां भरल्ली गुर्वार. कांय आज फाल्यां म्हण बाळांतपणाक दीस मेजताली. आमीं एकामेकाक सल्याय गर्जानीं बऱ्या सेजाऱ्याबरीं पावताल्यांव. मराठी तीं, स्वाभावानमोगाळी. आमचो बांद सादो, वेगळो आनी एका खऱ्या सेजाऱ्याचो.

त्या एका सकाळीं अचानक मोरेन आवाज दिल्लो. "रोनी अंकल म्हजे सांगाता हॉस्पिटलाक येशि गी, राधाक पोटांत कठीण दूक कंय", म्हणताना हांव कूडले तयार जालों. मोरेच्या चेर्क्याक आमगेर पतिणेसंगी सोडून हांव आनी मोरे, राधाक घेवन टॅक्सी करून हॉस्पिटलाक पावल्यांव.

राधाक दाक्तेरान तपासणी करून, "फ्ग्त्ल त्ल ग च्ब्भ्न्त्चळ्ज्छ चल्ज, कूडले सीजरियन ओपरेशन करुंक पडतेलें" म्हण सांग्ताना हांवय इल्लो खावजेलों तरी, हांवे मोरेक भुजायलें आनी धयर दिलें. दाक्तेराच्या मुखल्या हिश्यारयांक राकोन आसल्ल्या आमकां, राधाची तपासणी करून अर्ध्याच वरान दाक्तेरान मोरेक उलो दिल्लो. "मिसटर मोरे,

राधाक दत्प्ज्ल्ज ळ्ष्फ्ल भुर्गें आसा आनी स्पेशियलिसट सर्जन दाक्तेराक आपवन ताका ओपेरेशन करून विंगड करिजाय पडतेलें, लाख–दोन लाख रुपय पऱ्यांत खर्च जातोलो. चेडूं भुर्गें जीवंत आसा. दोन पोटां आनी दोन तकल्यो जोडसून आसात. परत ताका साक्र्या रूपाक हाडुंक साध्य आसा, भुर्गें भलायकेंत आसा जाल्ल्यान, आतां वेगिंच सर्जरी केल्यार बोव बरें आनी सलीस. भुर्ग्याची वाडावळ जाल्याउपरांत चड च्ब्भ्न्त्चळ्ज्छ जातेलें".

हांव मोरेकच पळेंवच्यार पडलों. दोळ्यानीं दुकां उमाळोन आयलीं तरी म्हजीं भगणां दांबून धरून हांवे ताका धयर दिलें. दाक्तेरान दिल्ल्या फोर्मार तुरंत ओपरेशन करुंक मोरेन कूडले सही केली.....!

हें घडीत माका म्हज्या ल्हानपणार घडल्ल्या घडिताचो उडास जिवो कर्च्यांत जाग्रत जालें. आज विजन्यान कितल्या मुकार पावलां न्हय. शिकाप, दाक्तेर, दुडू, साधनांचो आभाव आसल्ल्या त्या काळार हळ्ळेचो लोक असल्या दत्प्ज्ल्ज बाळांक "अंतू खुरीस, भूत, सयतान... जल्माला" म्हण लगाड काडताले न्हय..? तेदनां अशिकपी लोक, क्रिस्तांवांचो दुस्मान सयतान, अंतु खुरीस(चिटीणत्–छीण्डीत्ल्ण), भूत– म्हण असल्या निर्भागी बाळकांक, "जल्मातेच्च वारयारच वाडता आनी सर्वांक नास कर्ता" म्हळ्ळी नासमजोणी आनी भिरांत मतिंत घेवन तांचो जीव काडताले!. ही तांची चूक..? हांव नेणा. पूण आज, लोकाचीं मनोस्थिती, चिंताप, जाणवाय, शिकपावर्वीं बदल्ल्या आनी वैजन्यानीक म ` अभिवरद्देक पावलां. साध्य नातल्लें आज ह्यावर्वीं साध्य जालां..!

आतां ओपरेशना द्वारीं दत्प्ज्ल्ज, अपंग या चडीत विश्वे आसल्ल्यांक रूपांतर कर्तात, पूण विजन्यान, शिकाप, जाणवाय, कळीत नातल्ल्या त्या दिसानीं त्या मासूम भुर्ग्यांची खुनिंच सलीसायेची वाट जाल्ली!.

***

बौ.....बौ....

पेटो जोरान भोंकुंक लागल्लो...

जेवन मांद्रेर निदोन पडल्ल्या माकाय सटक्क करून जाग जाल्ली.... "तूं निदे पुता, वयजिणीक आपवन वरुंक जोनाम आयला", म्हणालीं म्हजीं मांय पान-पोड चाबतां चाबतां.

त्या रातीं साड आट वरार सुमार दोन मयलां पयस थावन, बोटा कुमेरिंतलो जोना, सूड घेवन वयजिणीक आपवन वरुंक आयिल्लो. जोनाची पतीण सिसिलाक दुवाळे सुरू जाल्ले कंय. सिसिलाचो हो तिस्रो बांळतेर. जेवाण करून पान पोड खावंक बसल्ली वयजीण जोनाक पळेवन उटली आनी सुनेक उलो मार्न आपणाचें भरल्लें पोतें हाडुंक फर्माय लागली. सुनेन पोतें हातीं दिल्लेंच तें घेवन व्हाणो शिर्कावन तयार जाली. "वोगेच बस पेट्या..." म्हण भोंकच्या पेट्याक जोर करून ती " चल जोना या"...म्हण जोनाच्या पाटल्यान चल्ली, गांवच्या आनीयेका भुर्ग्याक संसार दाकावंक!.

म्हज्या भुर्ग्यापणालो, कांय १९६५ इस्वेचो काळ तो. तेदनां गांवानीं होस्पिटलां आनी दाक्तेर बोव उणे आसले, उणे आसले म्हणच्याकी नातल्लेच म्हळ्यार कांय बदाक नां, आनी तेय असल्यारी कांय शहरानीं मात्र, तेंय कोडियाळांत!. कोडियाळ शेर आमकां बावीस मयलां दूर आसलें. गांवची पेंट आमकां सुमार देड मयला पयस. आमच्या गांवच्या त्या ल्हान हळ्ळेंत लोक सगळो कृषी करून दीस सार्चो. गादे, बेट, कुमेर, पड आसल्या जाग्यानीं कृषी करून दिसा पुर्तें जोडून पोट भर्चो मिनती लोक. स्वताचो जागो आसल्ले आपापल्या जाग्यानीं घोळताले तर आनी थोडे स्वताचो जागो नातल्ले, कूलिचें काम कर्ताले. सर्व धर्मांचो लोक मायामोगान आनी एकवटान जियेतालो.

गांवच्या गुर्वार आसल्ल्या बायलांक बांळतिपणाक पयसिल्या शेराक वचोंक जायनातलें आनी तितली सुविधाय तेदनां नातल्ली. कारां नातल्लिंच, बस्सां दिसाक तीन-चार आसल्लीं. पूण रातिच्या वेळार कोणाकी आस्पत्रेक वरुंक गर्ज पडली तरय कसलीच सवलात नातल्ली!.

लोक दुबळो जाल्ल्यान त्या हळ्ळेंत मात्र न्हय लागसिल्या आनी पयशिल्या हळ्ळेंक एकुच आया या मेडिबाय त्या पेंटेंत आसल्ली. पेंटेंत आसल्ल्या सर्कारी भलायके विभागाच्या ल्हानश्या क्लिनिकांत ती दिसाक चिकित्सा कर्ताली तर रातीक त्याच क्लिनिका पाटल्यान आपल्या कुटमा संगी रावताली. हळ्ळेंच्या लोकांच्या भलायके गर्जानीं ती पावताली मात्र न्हय स्त्रीयांचो बांळतेर काडताली. जाल्यारी लोकाक तिचेर भर्वासो उणो, आनी तिणे सांगल्लेंच सार्कें म्हळ्ळ्याबरीं वर्तन कर्ताली जाल्ल्यान लोक तिका नापसंद कर्तालो. दूसऱ्यान, तें सर्कारी क्लिनीक जाल्ल्यान हळ्ळेच्या लोका थंय तिची अलक्ष्या उटोन दिस्ताली.

पूण, त्या गांवांत वयजीण म्हण वोळकोंची, घरानीं वचोन बांळटेर काडची लोकामोगाळ स्त्री म्हळ्यार ही 'वयजीण' नतालबाय. आमच्या घरा कुशीन तिचें घर. म्हजी मौशी ती. प्राय कांय ६५ जातीत कोण्णा. पूण कुडीन चुरूक आनी सुडसुडी. तिका "वयजीण" म्हणच लोक वळकातालो. तिचें खरें नांव कोणय काडिनातलो. लोक तिका वयजीण बाय, वयजीण मामी, वयजीण मौशी, वयजीण वोडलिमांय अनी विवीध नांवानीं वळकाताले. म्हजी प्राय तेदनां कांय बारा वर्सां जातीत. म्हजी मांय सांग्ताली, माकाच न्हय सेजाच्र्या तसें आसपासच्या सर्व भुर्ग्यांक हो संसार दाकायिल्लो तिणेंच म्हण. तिचो नातू आनी नात आमचे सांगाताच इसकोलाक येतालीं-वेतालीं. वयजिणिच्या नांवान तांका बरीच मऱ्याद मेळताली, जांव इसकोलांत या गांवांत. आमचेलागीं वळक नातल्लेबरीं करून उलयनातल्लीं गांवचीं मनश्यां सयत तांचे लागीं सळावळीन उलयतालीं!.

गुर्वार बायलांक बाळांत कर्च्यांत वयजिणिचो उकल्लोलो हात तर, हेर ल्हान ल्हान पिडेंक सयत, चडावत जावन बायलांक, बाजी-पाल्यांचे वकात दीवन बरी कर्ताली. वयज नातल्ल्या त्या गांवांत लोकाक तीच आपात्कालीन वयज. गांवचो लोक 'गर्जेची जीव-दातार' म्हण तिका मांदताले. दिसाची ती केदनांय घरा आसानातली. घर्चे राटावळिंत ती मेतेर जायनातली. घर सांबाळुंक तिका आपुरबायेची सून आसल्ली. पयशिले तिका रातीक जांव दिसाक जांव घरा येवन आपवन वर्ताले. केदिंच ती ना म्हण कोणाकच इनकार करिनातली. तरी हरयेकल्या कडे ती तांच्या तांच्या म ` पर्माणे, व्यवहरा पर्माणे वाग्ताली. ग्रेस्त थोडे तिका दुडू आनी काणिको दिताले. थोड्या संगी सिग्रेटय वोडताली आनी कोणे बीडी या पान दिलें तरय ना म्हणानातली. तितलीच धयरादीकय ती जावनासली. कोणेंय सायकलार या मोटार बायकार बसवन वेल्यारी ती तयार!. तिच्या पुर्सते वेळार आमीं सर्व कुशिचीं भुर्गीं तिच्या समोर जमताल्यांव तिच्यो काण्यो आयकोंक. ती आमकां आपली पान पोड खातास्तां, तिचेलागीं

आसल्ल्यो वक्ताच्यो वस्तू आनी त्यो वस्तू तिणे आपणायिल्लो विषय आनी ताचे गूण, विचित्र आनी भयानक नमून्याचो 'सैतान' या 'अंतू खुरीस' जल्माल्लो विषय आनी इतर बोव आतुरायेच्यो काण्यो सांगताना आमीं कान नीट करून आयकोन बस्तल्यांव. पूण आमच्याच गांवांत घडिल्ली ही गजाल तिचे थावन हांवे जांव सेजारी भुर्ग्यानीं जांव आयकाल्लिनां. पूण म्हज्या आनान हें एक घडीत सविस्तार सांगल्लो उडास माका कांतावंक लागलो.

आमच्याच गांवांत सुमार देड मयला पयस, 'भोटा-कुमेरी'त चार कुटमा जियेतालीं तांतू दोन क्रिस्तांव तर आनी दोन भोटांची. तेणेंचे चडावत जाग्यांचें मालीक भोट जावनासल्ल्यान त्या जाग्याक 'भोटां कुमेर' म्हण नांव पडल्लें कंय! आमची भास कोंकणी तर तीं कन्नड उलयतालीं. तीं ग्रेस्त कुटमांची सुमार गादे आनी कुमेरी आसल्लीं धन्यां. पूण तीं हुटवळ या मिनत कर्चीं मनश्यां न्हय. त्या लागोन तांचे गादे क्रिस्तांवची घोळतालीं आनी ताणी तय केल्ली गेण दितालीं. तांचे मधें बरी सळावळ नातल्ली (ऊंच-नीच म्हळ्ळो बेदभाव आसल्ल्यान) तरी एकामेका गर्जेक पावतालीं!.

वयजिणेक आपवन वेल्ल्या दुस्रे दिसा सांजेर म्हज्या आनाक जोना गडंगाक वेच्या वाटेर भेटल्लो. चल्तां चल्तां जोनालागीं आनान सवाल केल्लें, "अरे जोना कितें जालें चेर्कोगी? ...चेडूं..?"

तोंड ल्हान करून ताणे जवाब दिल्ली कंय " कितें सांगों वल्लियाबा.... म्हजें नशीब... देवान्‌च आमकां वांचायलें... "अंतू खुरीस, भूत, सयतान जल्माल्लो"...! वांचल्यार तो वारयारच वाडता कंय....! म्हजें नशीब कसलें म्हणचें...? देवान्‌च राकलें...!

"दोन मांडे आनी चार हात....! पळेवंक विद्रूप... वयजिणेन आयिन्न वग्ता ताका लगाड काडून पूरून सोडलो...! नां तर कसलें अनाहूत आमका राकोन आसल्लें म्हण देवच जाणा" म्हणोन तोंड पुसून श्वास सोडून मुंदर्सून सांगोंक लागलो.

"आदल्या रातीक वयजिणीक घरा हाडून येताना कुशिच्या घर्ची भोटीण रघू बोटाची बायल जानकीय आमगेर भितर रीगल्ली... सिसिलाक दुवाळे लाग्ताना तीच कुमोक करुंक आयिल्ली कित्याक आमकां लागसिली सेजारी म्हळ्यार तिच्च. जानकी भोटीण सिसिलाक, 'सिसीलबाय' म्हण आपयताली. थोड्या वर्सां हेवशीन थावन सिसील आनी जानकी मित्रीण जाल्लीं. हांतूय जानकिचोच स्वार्थ आसा".

तो सांगोंनच वेतालो – भोटां– ब्राह्मण जातिचीं जाल्ल्यान क्रिस्तांवां थावन इल्लें पयस रावोन्‌च कसलोय व्यवार जांव उलोणे जांव कर्तालीं. कित्याक तीं शाकाहारी आनी किरिस्तांव आमीं मास खांवचीं. पूण त्या सुत्तुरांत लागसिलें घर म्हळ्यार आमचें आनी रघू भोटाचें जाल्ल्यान असहायक जानकीक दुस्रो आस्रो नातल्लो. ती लग्न जावन येताना आपल्या घरा लागसार जानकिच्या समासम प्रायेची स्त्री म्हळ्यार सिसील. आनीं तसेंच आमीं तांची वोकलां जाल्ल्यान तांका आमचेर हक्कय आसल्लें. दोनी घराण्यानीं गोर्वां पोस्ताल्यांव. जेदनां आमगेर दूद मेळना तेदनां जानकिगेर थावन आनी जेदनां तांगेर दूद मेळाना तेदनां आमगेर थावन आदली बदली कर्तालीं.

रघू भोटाक काजार जावन जानकी रघुगेर मेट दवरलेले वग्ता थावन, सिसिलान जानकी भोटणीक सांगात दिल्लो हरयेका संग्तिनीं. गोर्वांक तण-आर्कांज बेंडुंक, सोप काडुंक, खोलियो आरावन कुर्किलांत भरून मात्यार उकलुंक, शिकयलेलें सिसिलान. कोणाच्यो खबरो-गजाली सांगोंक, गप्पे मारुंक सिसील तिका जाय आसलें. दीस वेतां वेतां जानकी आनी सिसिलाची मित्रता वाडल्ली. भोटनिच्या बांळतेरा वेळार सिसिलान कुमोक केल्ली. तिचे दोनी बांळतेर काडुंकय वयजिणीकच आपयिल्लें. वयजीण क्रिस्तांव तरी बांळतेर काडुंक तांका दुस्रो उपाव नातल्लो. कित्याक रघू भोटाचें घराणें तितलें दुडवाधीक/ग्रेस्त न्हय आसलें. त्या वर्वीं हेर भोटां प्रास तांचो स्वाभाव, चाल बरी आसोन दूसऱ्यां सार्कें घमंडय नातल्लें, शिवाय जानकी भटीण सिसिलाक मांदताली.

सिसिलाचो हो तिस्रो बांळतेर, पयल्या चेडवा उपरांत दोन वर्सांनीं चेर्को जाल्लो. ह्या पावटीं सिसिलाक पोट दूक विपरीत आसल्ली. सिसिलाचें पोट चडीत व्हड म्हळ्ळेबरीं दिस्तालें. तसें जावन वयजिणीकय दुबाव कांय जोवळीं भुर्गीं आसातगाय म्हळ्ळो!. वयजीण सिसिलाचो बांळतेर करुंक हर प्रयत्न करून आसली. रात मध्यान जाली तरी सिसिलाक पोटांत दूक ऊणी जायनातल्ली. जानकी सिसिलाचे कुशीक रावोन भुजावण दीवन ताचें पोट पोशेताली.

सिसिलाक दूख वाडताना जानकीक समजालें जायजाय, क्षणान वयजिणीक तिणे उलो दिलो. भायर वयजिणीन एदोळच सर्व तयारी कर्न जाल्ली. जानकिच्या उल्याक पाळो दीवन वयजिणेन सिसिलाचें पोट पुसून तिक्के जोरान बळ घालुंक हिशारो केलो. वयजीण आतां भुर्गें भायर वोडुंक प्रयत्न कर्ताना भुर्ग्या थंय कठीण ऊण आसात ते कळीत जाल्लें. पूण जानकी भोटनी मुकार कितेंच करुंक जांवचे ना म्हणोन जानकीक कसें तरी करून घरा धाडुंक जाय, ती आसल्यार कितेंच करुंक जावचेनां म्हण संदर्भ सोदताली.

"जानकी तुज्या घरा धोव्या वस्तुराचो कुडको आसा तर हाडून ये" म्हणाली. जानकी, 'आत्तां हाडून येता बाये' म्हण चल्ली. वयजीण आतां आनीकी चुरूक जाली.

कसें तरी करून भुर्ग्याक भायर तिणे काडल्लें ... सिसील दूखीन उळवुळतालें... घामान बूडल्लें तरी भुर्गें भायर पडतच, आपलो स्वास सोडून दोळे दांपून 'देवाक आर्गां' म्हणालें. पूण भुर्गें भायर पडताना ताच्या रडण्याचो आवाज ताका आयकालोना...!

"तुका अंतू खुरीस जाला सिसिला!..., ताका वाडोंक सोडल्यार बारीच वायट घडोंक आसा. आतांच ताका मारून पुरुंक जाय, ती जानकी भोटीण हांगा पांवच्या पयलें काम तिर्शिजाय."

सिसील दुकांनीं उमाळोन भुर्ग्याक चोयता तर 'चार हात आनी दोन तकल्यो आसल्लें सयतानाच्या रुपण्या सार्कें' त्या रगताच्या आवारा मधें विद्रूप ताका दिसलें!.

"नां......, देवा तुंच राक" म्हण किंक्राट मार्ताना, भायर बसल्ल्या जोनान भितर धांव मारली.

"कितें जालें सिसील..." म्हणताना वयजिणीन सांगोन सोडलें.

"जोना... तुका वायट राकोन आसा.... तुका अंतू खुरीस जल्माला....सयतान , भूत जाला... ताचें अंत केलां, कूडले वरून पाटीं नाण्येच्या सुत्तुरांत पोंड काडून पुरून सोड... जानकी पाटीं पांवच्या पयलें... चड घळाय करिनाका... कोणाकच खबर कळोंक न्हजो!..."

जोनाक घडगडो मारल्लो भास जालो.

"वेगीं कर...ती जानकी हांगा पांवच्या पयलें....! तिका हांव सांभाळता"...

जोना, तक्षण वयजिणीन वस्तुरांत गुटली करून दिल्ल्या विद्रूप आकाराक पळेवन थटाकलो....कांपच्या हातानीं ताका घेवन सरारां घेवन नाण्येच्या तेवशीं मेटां काडिलागलो उदगार सोडून "देवा तुंच पाव..."

"भुर्गें कसलें सिसिला ...चेर्कोवे...? कोणा सार्को दिस्ता..?" जानकी धोवो वस्तुरा कुडको हाडून वयजिणिच्या हातांत दीवून कूतुहलान विचारी.

"सिसिलाक आपल्या भुर्ग्याक पळेवंक देवान फावो केलेनां जानकी....भुर्गें भायर पडतानांच मरण पावल्लें, आशें जावन भायर काडुंक कषट जाले आनी सिसिलाक ह्या संकषटांतलें देवान्ंच राकलें!..." म्हण वयजिणीन मधेंच दाय घाली. इतल्यार कुशीक निदोन आसल्लें सिसील रडोन एक हात पोटाक दुस्रो हात तोंडाक धरून सुसकार्चें पळेवन जानकी ताका भुजावण सांगोंक लागीं सरली "देवाची खुशी सिसील बाये.... रामान्ंच तुका राकलें... तुजी भलायकी सांभाळ बाये....." म्हण रामाक हात जोडून, सिसिलाक पोशेवंक लागली कितेंच दुबाव करिनास्तां.

वयजीण मतिंतच चिंताली, "जर जानकी हांगाच आसल्ली तर 'गणपतिच्याच रुपाचो पूत जाला' म्हण आरती करून पुजा कर्ती कोण्णा"..!!, आपले हात जानकीन हाडलेल्या वस्तुराक पुसित्त, "असलें घडीत कितें माका पयलें पावटिंगी!?" म्हण लांब उस्वास घेवन हासात्त भायर आयली.


---

कोंकणी निरंतरी... पयणारी.
कन्नड-नागरी-रोमी लिपिंनी कोंकणी साहित्य परगट कर्चो कोंकणिंतलो पयलो तशेंच एक मात्र जाळिजागो: www.poinnari.com

कविता

# काकुळट येता देशाची

(खलील जिब्रानाउपरांत)




इंग्लीश मूळ: लॉरेन्स फरलिंगेटी

कोंकणीक तर्जण: शैलेंद्र मेहता




**काकुळट येता देशाची**

जंय लोक मेंढरांवरी जियेतात
आनी जंय तांचे राखणे तांकां
चुकीची वाट दाखयतात
काकुळट येता देशाची
जाचे फुडारी फटिंग
जंय तपस्व्यांक केल्यात मोने
जंय धर्मकोल्ली व्यापतात अवकाश
काकुळट येता देशाची
जो वाडयना आपलो आवाज
पूण दवरता मोख
संवसाराचेर शेक गाजोवपाची
बळजबरी आनी अत्याचार करून
आनी समजना ताका
आनीक खंयचीच भास
फकत आपली सोडून

काकुळट येता देशाची
जाचो स्वास म्हळ्यार पैसो
आनी जाका लागता न्हिद
पोट उपाट भरिल्ल्यावरी
काकुळट येता देशाची
ओह, येता काकुळट म्हज्या देशांतल्या लोकांची
म्हज्या देशा, तुज्या दोळ्यांतलीं दुकां
मोगाळ भूंय मुक्तीची!



१९६० च्या दशकांत अमेरिकेंतल्या सॅनफ्रान्सिस्को वाठारांत बिट पोएट्री ह्या काव्यप्रकाराचो जल्म जालो. ह्या काव्यप्रकाराची बुन्याद म्हळ्यार वेवस्थेआड बंडखोरी. मानवी हक्काची राखण, व्हिएतनाम झुजाक विरोध अशे तेन्नाचे अनेक राजकी प्रस्न ह्या काव्यप्रकारान उत्काडार हाडले. हे चळवळींतले मुखेल कांय कवी म्हळ्यार अलन गिन्सबर्ग, बॉब डॉनलॉन उर्फ रॉब डॉनेली, नील कॅसाडी, रॉबर्ट लाविन्य आनी ह्या सगळ्यांक एकठांय हाडून कवितावाचनाच्यो जाहीर कार्यावळी घडोवन हाडपी लॉरेन्स फरलिंगेटी. हे चळवळीन संवसारांतल्या अनेक कवींक प्रेरणा दिली.

खलील जिब्रानाची ताच्या मरणाउपरांत उजवाडाक आयिल्ल्या The Garden of The Prophet ह्या पुस्तकांत Pity The Nation ह्या नांवाची एक कविता आसा. ते कवितेचेर फुडें भाश्य करपी त्याच नांवाची कविता लॉरेन्स फरलिंगेटीन बरयली तिचो हो अणकार.

# कविता तरी हांव उट्तलींच (And Still I Rise)




इंग्लीश मूळ: माया आंजेलौ
कोंकणीक तर्जण: जेराल्ड वि. कार्लो




तुंवे कोडसाणेन वोळायलेल्या फटिनीं
म्हाका इतिहासाचा गर्भांत चेप्येत,
धर्णीर शेवटावन म्हाका धुळिंत रगड्येत,
तरी, त्याच धुळी बरीं हांव फरत उटतेलीं.

म्हजें खडक उलणे तुका दोस्ता?
निरासेन कित्याक बुडलाय?
म्हजा घरा भितेर तेला बांय चलोन आसा तशें
उलवन आसां म्हणोन?

जशें चंद्र, आनी जशें सूऱ्यो,
नियमीत सुक्ती-भर्ती,
उभार उडचा भर्वश्या जशें, हांव उटतेलीं.
म्हान बागावन, दीश्ट चुकवन
गळचा दुकां बरीं भुजां देंववन
हार्वाल्ल्या म्हजा आत्म्याचें रडणे आयकोंक,
तूं राकोन आसलोय?

म्हजें अर्गांट तुका चाळवायता?
समधान घे उचांबळ जायनाका, कित्या
हांव हास्तां जशें भांग्राची खणी
म्हजा घर्चा हितलांत आसा?

उत्रांचे फार म्हजेर तुंवे सोड्येत,
तुजा तीक्ष्ण दिश्टेन म्हाका शिंद्येत,
द्वेषान तुजा म्हाका जिवेशीं माऱ्येत,
तरी, वाऱ्या बरीं हांव उटतेलीं.

म्हजी मादकता तुका अस्वस्त कर्ता?
जशें म्हजा जांगां मधें वज्रां आसात तशें हांवे नाच्चें
तुका विज्मीत कर्ता?

इतिहासांतल्या लज्मञ्या जोपड्यां थावन
हांव उटतेलीं
भूत काळांत किरलाल्ल्या दूकीं थावन
हांव उटतेलीं
हांव जावनासां उचांबळीत काळो सागोर, उडतां विस्तार्ता
तरी सांभाळुंक सक्तां.

भिरांतिच्यो आनी आकांताच्यो राती बगलेक लोटून
फूड करुंक एक अपुरबायेचो सकाळ
हांव उटतेलीं.
हांव उटतेलीं
म्हजा पुर्वजानीं दिल्लें बदीक घेवन,
हांव गुलामांचें सपाण तशें भर्वासो.
हांव उटतेलीं
हांव उटतेलीं
हांव उटतेलीं.

यदाहां जीवमी, अहमाशांसे
जीव आसतासर भर्वसतां

कविता

## पाक्याच्या दुकांसरी

(ग्लॅनीश मार्टीस, अलंगार)

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत दुसरें इनाम जोडलली कविता



प्रकास फांकल्ले कडेन अंदकार
ह्या दोळ्यांनी भरला
कापूस उश्यांतलो भिजानातलेले परीं,
पोल्यार दोन व्हाजयिल्लेबरी
झर जावन फुटलेलें उदक
व्हाळ जावंक उरलां
ह्ये रातीं!

अंदकार सारल्ले थंय उज्वाड
गर्जे तितलो जाय पडला
दिव्याची ऊब, मेणाचो सांगात
जळयल्यारी जिवाळ्ळेशीं
थेंब्यांच्या मिलना जशें
देंवोन येंवची विनती देंवल्या
ह्ये रातीं!

न्याय मेळनास्तां वळवळचो
कुर्डो अत्मो हो
रडता असोयी दिसाबरार
काळे प``पाटल्यान कितें लिपलां तें
विचार्ता कोडतिच्ये न्यायमातेक
विजा सरियांचो आधार घेवनी
लांबता पाक्याबरी!

पाक्या साक्र्या दुबळ्याचें
हें निशब्ध? दूक? पुसचें सोडून
नीत लाभंवची देवी? पावस? लेकून
सत्री सोडवंक धडभडच्ये परीं दिस्ता
ह्या कुर्ड्या दोळ्यांक
ह्ये काळके रातीं!

(पाको = एक सस्तन. जो रातिचें भोंवता, दिसाचें निदता [घ्ळ])

कविता

## पुजारी आनी बलिदान...!

(प्रसन्न निड्डोडी, मुंबई)

२०२१ इस्वेच्या दे|विलफी रेबिंबस स्मारक पयणारी-वीज जागतीक मट्टाच्या कोंकणी साहित्यीक सर्तेंत तिसरें इनाम जोडलली कविता



देवाळांत दिवो जळवन
सदां आरती कर्चे हात
कांप्तात आज दिव्या पंदा
दोळे धांपून काळोकाक सोदून

उज्वाड दिव्याचो फांकच्या निबान
दिव्या तेल धर्णीर शिंपडावन
दोळ्यांक काळो कुडको बांदून
लायता उजो धर्म–दिवळाक

रंगा वस्तूर कूडीर पासून
विणगे मतीक आरावन धरून
सुण्या मुकोटांत बोल्पो जावून
रगता सिंधूर कपालार मारून

भक्त देवाची कर्तुवां देंवचाराचीं
धयर दीवन आसा रावण राजा
कपलार धोवो नाम आंगार कावी
पर्वणगी दिता सक्ती करुंक मजा–मस्ती

मनशापणाच्या आडांत जान्वाराची चाल
रावणाच्या रूपांत, रामाची भक्त
हातांत मणी तोंडांत देवा–गाणीं
चल्ता मनी कशें हाडूं तिका चरणी

आल्तारिच्या मंद उज्वाडा भितरी
धुंप चडवन आरती कर्च्या वेळेरी
रगता बली भिर्मत निर्जीव नारी..!

कविता

## वावझड



आयल्यार येवं शिर्शिरो
खाल्यार खावं शीं
आड्याळ्या पावसाचे वावझडीन
जावं दी खातड मनांत
निर्मळ विचारांची
येवं दी जोगलां
नीट भितर
जळून जावं गोबर
दुस्वासाचो

ही वावझड लागून म्हाका
मोगाच्या पावसान
भिजूंक जाय
देखून अंदूच्या मिर्गार
हांवे म्हज्या मनाक
झड बांदूक ना



– उदय म्हांबरोऊ

## बाबा तुज्या यादींत

सर्गाराजांत आज तुजो पयलो
जल्मा दिवस
रडतात अमचीं काळजां दोसताना
तुजो उडास

तुज्या फोंडा वयलीं फुलां बावल्यारी
तुजे यादी अजून जिवे असात
तुज्या मोर्नाचे वाती पालवल्यारी
तुज्यो शिकवण्यो अमच्या वाटेक
दिवो जाल्यात.

दुखानीं वोले दोळे चोयतात
वोणतीर उमकाळच्या तुज्या तस्वीरेक
दिंबियेर पडोन मागोन असांव
लाबों शांती तुज्या अत्म्याक



दुखेस्त डेसा कुटम, शांतिपुरऊ

# Are you feeling low, **lonely**, left alone?

## Come to
## Sarva Dharma Sangama



# and stay with us!

**In nature's nest, surrounded by water, sunlight, breeze and environ friendly atmosphere to energise, enrich and empower yourself**

## Mentally, Medically, Spiritually

**To lift you up.**

'Ian Cares' Foundation

**Call:**
**Desmond Menezes @9663439318**
**Ian Cares Foundation**
**Quila Kinnigoli**